

सत्यमेव जयते

Government of India
Ministry of Tribal Affairs

Empowered lives.
Resilient nations.

# वन हक्क कायद्या विशीं वारंवार विचारिल्ले प्रस्न

## भारत सरकार, आदिवासी कार्य मंत्रालय

# वन हक्क
# कायद्या विशीं वारंवार
# विचारिल्ले प्रस्न

## भारत सरकार, आदिवासी कार्य मंत्रालय

पंचायती राज मंत्रालय यूएनडीपी प्रकल्प,
सरदार पटेल भवन
नवी दिल्ली - 110001
हाणीं उजवाडायल्या
Translated and Printed in Konkani by:
GIPARD (SIRDPR), Old Goa.

# विशयसुची


| | |
|---|---|
| वन हक्क कायद्याचे अंमलबजावणेची प्रक्रिया. | 01 |
| ग्राम सभा आनी तिच्यो बसका. | 06 |
| वन हक्क कायद्याचें लागूपण. | 09 |
| वन निवासी अनुसूचीत जमाती आनी हेर पारंपारीक वन निवासीं खातीर पात्रताय. | 12 |
| खासा आघातक्षम आदिवासी पंगड. | 19 |
| किरकोळ वन उत्पादनां. | 22 |
| वन गांवां आनी सर्वेक्षण जाल्लें नाशिल्ल्या गांवांचें रूपांतरण. | 31 |
| मालकी हक्क आनी हक्कांची नोंदणी. | 37 |
| सामुदायीक वन संसाधन अधिकार. | 38 |
| वन वेवस्थापन जोड-समित्यांची स्थिती. | 45 |
| विकास आनी वन हक्क कायदो. | 47 |
| किरकोळ. | 54 |
| संक्षेपीकरण आनी आद्याक्षरीकरण. | 61 |

# वन हक्क कायद्याचे अंमलबजावणेची प्रक्रिया

## वन हक्क कायद्याखाला वन हक्क मान्यताये खातीर अर्ज करपाची निमाणी मुदत आसा व्हय?

अर्ज करपाक तशी निमाणी मुदत नासता. अर्ज मान्यताये खातीर मुखार धाडपा खातीर वन हक्क कायद्याच्या नेम-11 (1) (a) प्रमाण कार्यवाही जावंक जाय. ह्या नेमा वरवीं ग्राम सभेन वनाचेर कोणाचोय दावो वा मालकी आसा काय हाची पडताळणी करून तो अर्ज वन हक्कसमितीचे मान्यताये खातीर धाडपाचो आसता. कारण 'ग्राम सभा ही खंयचें वन व्यक्तीगत मालकीचें आनी खंयचें सामुदायीक वा तें दोनय तरांचें जावन आसा तें थारावपाची आनी ताचें स्वरूप थारावपी अधिकारिणी जावन आसा.' हे प्रक्रियेचो आरंब ग्राम सभेन करपाचो आसता. तो वन हक्क समितीन करपाचो नासता.

ग्राम सभेन हक्क विशींच्या दाव्यांची सुचोवणी केल्या उपरांत त्या दिसा सावन तीन म्हयन्यां भितर दावें दाखल करपाक जाय. ही तीन म्हयन्यांची मुदत ग्राम सभेक जाय जाल्यार, तशी मुदतवाड दिवंयेता. पूण तशी मुदतवाड दिवपाच्या कारणांची नोंद करप गरजेचें आसता.

## वन हक्क कायद्या खाला अर्ज स्वीकारपाची वा त्या अर्जाचेर प्रक्रिया सुरू करपाची मुदत (निमाणी तारीख) थारायिल्ली ना?

वन हक्ककायदो हो देशांतल्या गरीबांतल्या गरीब आनी... लोकांच्या हक्कांक मान्यताय दिवपा खातीर केल्लो आसा. असल्या जमातींक अश्या तरेचो कायदो आसा हें खूब काळा मेरेन कळचें ना. अशी निर्धारीत मुदत घाली जाल्यार प्रशासनाच्या तांकां वन हक्ककायद्या विशीं कळोवपा मदीं आयिल्ल्या अपेशाची शिक्षा दिल्ले वरी जातली.

ह्या कायद्याचे अंमलबजावणेच्या वावरांत खूबशीं राज्यां आनी संघप्रदेश फाटी आसात. तांकां खूबच

वावर करचो पडटलो. वन हक्ककायद्याचे अंमलबजावणेचो वावर आनी ताचो व्याप थारावपाची ग्राम सभा ही अधिकारीणी जावन आसा. म्हण ग्राम सभेन स्वता मुदत निर्धारीत करप समा जाता.

त्याच बराबर हेंवय मतींत घेवप गरजेचें, तें म्हळ्यार वनांचेर जाल्लीं नवीं अतिक्रमणां नेमा खाला हाडपा खातीर मुदत निर्धारीत करप योग्य आसा. वन हक्क कायदो हो अतिक्रमणांच्या नियमितीकरणा खातीर केल्लो ना. हो कायदो 13 डिसेंबर 2005 हे तारखे पयलीं अस्तित्वांत आशिल्ल्या आनी खऱ्या हक्कदारांकच तांच्या वनांच्या हक्कांक मान्यताय दिवपा खातीर केल्लो आसा. म्हंटगीर कायद्यान पयलींच तारीख थारायिल्ली आसा. म्हण आनीक नवे निर्धारीत मुदतीची गरज ना. नवी अतिक्रमणां जाल्लीं आसल्यार रान खातें, भारतीय वन कायदो-1927 त्याच प्रमाण राज्य सरकारान केल्ल्या कायद्यांखाला फावो तशी कारवाय करतलें.

## जिल्हा अधिकाऱ्याच्यान(डिस्ट्रिक्ट कलेक्टर) मालकी हक्क करारपत्राचेर सय करपाचे अधिकार विभागीय महसूल अधिकाऱ्याक दिवं येतात?

वन हक्क नेमावळीच्या परिशिश्ट ।। आणि ।।। प्रमाण रानांची जमीन आनी सामाजीक वन हक्काच्या करारपत्रांचेर जिल्हो अधिकारी वा उप-आयुक्त हांणी सय करपाक जाय. वन हक्क नेमावळीच्या नेम8(h) खाला हो अधिकार जिल्हो पावंड्या वयल्या समितीच्या वावरा खाला दिल्लो आसता. म्हण ते अधिकार विभागीय महसूल वा हेर खंयच्याय अधिकाऱ्याक दिवंक शकनात.

## वन हक्क कायद्या खाला आपलीं कामां/जापसालदारकीचो वावर चालीक लावपा खातीर ग्राम सभेच्यान वन हक्क समितीचे बदला वा चडावत अशी ग्राम सभेचे वांगडी नाशिल्ले व्यक्तींची ग्राम सभेक मदत करपी आनी मालकी हक्क दिवपी अशी समिती स्थापन करूं येता?

वन हक्क कायदो आनी वन हक्क नेमावळ दुसरी खंयचीच समिती स्थापन करूंक मान्यताय दिना. तशें

सांगपी नेम म्हळ्यार4(1)(e) त्याच प्रमाण ग्राम सभेची वांगडी नाशिल्ली व्यक्ती जे समितींत आसा अशी समिती ग्राम सभेक मालकी हक्क आनी करार पत्रांक मान्यताय दिवपा खातीर नेमपाक ही नेमावळ अजिबात मान्यताय दिना. इतलेंच न्हय तर असले समितीन घेतिल्ले कसलेय निर्णय वा कार्यवाहीक कसलीच कायदेशीर किंमत नासतली आनी ती आपसूकच रद्द थारता.

## नगर पालिका वाठारा खातीरचे उप विभागीय समितीचे वांगडी कशे नेमप?

गांवगिऱ्या वाठारांतली उप विभागीय समिती ही वन हक्क नेमावळीच्या नेम 5 मदल्या तजविजीं प्रमाणच नेमूंक जाय. जेन्ना वन हक्क कायद्या खाला नगर पालिका वाठारांत समिती नेमतना आदिवासी कार्य मंत्रालयान 05-03-2015 ह्या दिसा उजवाडायिल्लया परिपत्रक क्र. F.NO.19020/02/2012-FRA (VOL.II) हांतल्या कलम 3.5 प्रमाण नेमपाची आसता.तें कलम अशें आसा.

3.5 उप विभागीय आनी विभागीय समिती नगर पालिका वाठारा खातीर नेमतनाफुडल्या नेमा प्रमाण आसतली.

a- राज्य घटनेच्या सव्या अनुसूचींत आसपाव नाशिल्ले नगर पालिका वाठार, वन हक्क नेम ५(उ) प्रमाण निर्देशीत केल्ल्या प्रमाण उप विभागीय समिती मदले पंचायती राज संस्थेचे तीन प्रतिनिधी उप विभागीय वाठारांतली/ल्यो नगर पालिकां मदीं नांवां निर्देशीत केल्ले प्रतिनिधी बदलूं येतात. पूण तांचे मदीं दोन वांगडी अनुसूचीत जमातीचे आसूंक जाय. ते शक्य तो वनवासी वा असुरक्षित आदिवासी गटांतले आसचे. जंय अनुसूचीत जमातीचे दोन वांगडी नात थंय खासा हेर पारंपरीक वनवासी आनी एक महिला वांगडीआसची. पूण उप विभागांत एका परस चड नगर पालिका आसात जाल्यार तातूंत रावपी आदिवासी लोक संख्येच्या घटत्या प्रमाणांत वांगड्यांक वेगवेगळ्या नगर पालिकांतल्यान नेमतले.

## ग्राम सभेचो दावो न्हयकारपाचो वा मान्यताय दिवपाचो जो निर्णय जाल्लो आसा ताचेर परतून चर्चा, भासाभास जावपा खातीर तो मुद्दो परत हाडूं येता?

जंय उप विभागीय वा जिल्हो समितीक ग्राम सभेचो निर्णय अपूर्ण, अर्दकुटो वा वयले वयर पळयल्यार चडावत तपासणेची गरज आसा अशें दिसल्यार समिती तो निर्णय/दावो पुनर्विचारा खातीर परत ग्राम सभे कडेन धाडटली. ह्या संबंदान नेम12 A(6) पळोवचो. जंय उप विभागीय समिती वा जिल्हो समिती ग्राम सभेचो निर्णय नाकारतात वा ताच्या मदीं बदल करतात तेन्ना तांणी तशें करपाचीं कारणां सविस्तर पणान दिवचीं पडटात. नेम12A(10) पळयात. तंत्रिक वा प्रतिक्रियात्मक अशे दावे नाकारूं नयेत अशें वन हक्क नेमावळ सांगता. नेम12A(10) पळयात.

जंय अर्दकुट्या पुराव्याच्या आधाराचेर दावे नाकारल्यात थंय फक्त ग्राम सभेचेच न्हय तर उप विभागीय आनी जिल्हो समितीचे निर्णय सुद्धां तेच तरेन घेतल्यात अश्यो घडणूको नदरेक आयल्यात. म्हण आदिवासी मंत्रालयान 27/7/2015 ह्या दिसा क्र. F.No 23011/18/2015-FRA हें परिपत्रक जारी केलां.त्या वरवीं वन हक्क नेमावळीच्या नेम 6(b) चेर अवलंबून उप विभागीय समिती आनी जिल्हो समितीक महसूल आनी भूंय संदर्भांतले नकाशे ग्राम सभेक मेळोवन दिवन पालव करपाक सुचयता. ह्या आधाराचेर, अर्दकुट्या पुरव्यांक लागून नाकारिल्ले वा वयले वयर पळयिल्ले कडेन चडावत पुरावे गरजेचे आसात अशें दिसलां, तसले दावे परत तपासणे खातीर घेवचे अशें सुचयलां.

## जिल्हो समितीच्या आदेशा आड अपिल करूं येता?

वन हक्क कायद्याचें कलम 6(6) प्रमाण जिल्हो समितीचो निर्णय अंतिम आनी बंधनकारक आसता हें स्पश्ट जाता. ताका लागून कायदेशीर अपिलाची प्रक्रिया जिल्हो समितीच्या निर्णयान सोंपता.

पूण अर्ज/दावो नाकारपाचीं कारणा दावेदारांक दिवप तितलेंच गरजेचें. अशे दावो नाकारिल्ले दावेदार न्यायालयांत रीट अर्जा वरवीं सक्रीय जावप वा कायद्यांत आशिल्ले हेर मार्ग आपणावनखंयचोय जाय तो कायदेशीर मार्ग काडूंक शकतात.

जर जिल्हो समितीचो निर्णय वन हक्क कायदो वा प्रशासकीय कलम ८ खाला आशिल्ल्या तरतुदींच्या आड आसत जाल्यार राज्य पावंड्या वयले देखरेख समितीक फावो ती सुचोवणी करून ग्राम सभेंत ताचो विचार करूंक जाता.

## गोरखा लँड प्रादेशिक प्रशासन वाठारा सारक्या खास प्रशासीत वाठारांत वन हक्क कायदो 2006 चे अंमलबजावणे खातीर खंयची सक्षम अधिकारीणी जावन आसा?

उप विभागीय समिती आन जिल्हो समितीचें वांगडीपण पंचायती राज कायद्याखाला येवपी वाठार आनी सव्या अनुसूचीत वाठारा खातीर म्हण थारायिल्लो आसा. पूण दोनय वाठारा खाला येवपी न्हय अशे कांय वाठार आसात. म्हण अश्या वाठारांत ग्राम सभा, उप विभागीय समिती आनी जिल्हो समिती घडोवपाविशीं प्रस्न उप्रासला.

गोरखा लँड टेरिटोरियल ॲडमिनिस्ट्रेशन(GTA) वाठाराच्या संदर्भात गोरखालँड प्रादेशिक प्रशासन कायदो-2011 (हाचे मुखार2011 कायदो असो उल्लेख येतलो) आनी पश्चिम बंगाल पंचायत कायदो-1973 (हाचे मुखार1973 कायदो असो उल्लेख येतलो) हाचे वरवीं प्रशासन चलता. त्या विशीं मंत्रायान स्पश्टीकरण जारी केलां. 1973 कायद्याच्या कलम 2(13) खाला'मौजा'ची व्याख्या 8.10.2015 ह्या दिसा जारी केल्या परिपत्रक क्र. 23011/11/2013-FRA वरवीं स्पश्ट केल्या.त्या प्रमाण ताचें वर्णन'परिभाशीत केल्लें, सर्वेक्षण केल्लें आी नोंदीकरण केल्लें क्षेत्र ' म्हळ्यार'मौजः' जशें जिल्ह्याच्या महसूलाचे नोंदींत लोकां खातीर क्षेफळाचें सगल्यांत उणे अशें एकक म्हळ्यार गांव निर्दिश्ट करपा खातीर 1973 कायद्याच्या कलम 2(13) खाला ग्राम सभेचे व्याख्येचें बारीक साणीन पडबींब दाखयलां वन हक्क कायदो हीच व्याख्या ग्राम सभा घडोवपा खातीर मानून घेता. ही ग्राम सभा वन हक्क कायद्याच्या कलम-6 खाला वन हक्क थारावपाची आनी त्या प्रमाण वन हक्क समितीचे वांगडी तांतल्यान घेवं येतात.

राज्य कारभाराच्या संक्रमण अवस्थेंत आशिल्ल्या अश्या खूबश्या वाठारांत तरेकवार कारणांक लागून वेंचून आयिल्ल्यो पंचायत संस्था नात. अशे परिस्थितींत वन हक्क नेमावळीच्या नेम5(c) आणि7(c) खाला उप विभागीय समिती आनी जिल्हो समिती घडोवपाच्या उद्देशान ब्लॉक वा तहसील पावंड्या वयले पंचायतीचे तीन वांगडी आी जिल्हो पंचायतीचे तीन वांगडी बदलपाक जातात. तांच्या बदला GTA चे वा तत्सम समितीचे वेंचून आयिल्ले वांगडी घेवप आसता.

ताच्या उपरांत वन हक्क कायदो 2006 आनी वन हक्क नेमावळ त्याच प्रमाण मंत्रालयान वेळावेळार जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्त्वां प्रमाण वन हक्क मानून घेवन अधिकारा खातीरचे प्रक्रियेक पाळो दिवंक शकता.

## ग्राम सभा आनी तिच्यो बसका

### अनुसूचीत क्षेत्रांत आनी बिगर-अनुसूचीत क्षेत्रांत ग्राम सभा घडोवप आनी तांच्यो बसका घेवप हाची वेगळी गरज आसता?

वन हक्क कायद्याच्या उद्देशान 'ग्राम सभा' आनी 'गांव' हांची व्याख्या ह्या कायद्याच्या कलम 2(g) आनी 2(p) वरवीं स्पश्ट केल्या. जंय खंयचेंच वन-गांव, पोरणी वसती, वसती, आनी सर्वेक्षण केल्लें ना अशें गांव सुद्धां 'गांव' म्हण मानू येता. असल्यो संस्था जरी गांव म्हण अधिसूचीत वा नोंद जाल्यो नासल्यो, तरी ह्या कायद्याच्या उद्देशाक त्यो गांव म्हण मानतले.

PESA लागू आशिल्ल्या आनी पांचवे अनुसूचींत आसपाव नाशिल्ल्या वाठारांतल्या गांवांत सुद्धां ग्रामसभा ह्यो वसती पावंड्यार घेवंक जाय अशें वन हक्क नेमावळीच्या 6/9/2012 ह्या दिसा सुधारिल्ले नेमावळींत स्पश्टपणान सांगलां.

हाचो अर्थ क्षेत्र अनुसूचीत आसूं वा बिगर-अनुसूचीत आसूं गांव पावंड्यार वा वसती पावंड्यार ग्राम सभा ही घेवंकच जाय असो जाता.

## देशाच्या कांय वाठारांत लोकसंख्येची घनता/दाटाय सामकी उणी आसा. कांय वाठारांत थोडेच लोक रावतात. अश्या गावांनी वन हक्क कायद्या खाला समित्यो कश्यो घडोवप?

PESA खाला प्रदान केल्ल्या गावांची वन हक्क कायद्या खातीर केल्ली व्याख्या अंमलबजावणे खातीर मानून घेवंक जाय. अनुसूचीत आनी बिगर अनुसूचीत अश्या दोनय वाठारांत वसती वा वस्त्यांचो चोमो वा गांव वा वसत्यांच्या चोम्योचो आसपाव आसता. ही जमात वा चोमो आपणाले वेव्हार परंपरेन चलयता आनी जीणेची शैली सांबाळून आसता. तांकां वन हक्क कायद्याच्या कलम2(p) (i) प्रमाण गांव ही व्याख्या लागू जाता. (पळयात PESA चें कलम 4 (b) ताका लागून हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड आनी हेर राज्यांच्या हिमालयीन वाठारांत, जंय सामकी उणी लोकसंख्या आसा त्या गांवांचे बाबतींत गांवांच्या चोम्याची(क्लस्टर ऑफ व्हिलेजीस) एकठावीत ग्राम सभा जावंक शकता. वन हक्क कायद्याचे अंमलबजावणे खातीर आनी वन हक्क समिती अशे ग्राम सभेंतल्यान घडोवप आसता.

## वन हक्क कायदो चालीक लावपा खातीर ग्राम पंचायत पावंड्याचेर ग्राम सभेच्यो बसका घेवंक जातात?

वन हक्क कायद्याचे नदरेन ग्राम पंचायत पावंड्यार ग्राम सभा आपोवंनये चडश्या ग्राम पंचायतींत एक परस चड महसूली गांवांचो आसपाव आसता. वन हक्क कायद्यांतले तजविजे प्रमाण ग्राम सभा ह्यो गांव/वसती पावंड्यार घेवपाच्यो आसतात. वन हक्क कायद्यांत ग्राम सभेची भूमिका खूब म्हत्वाची आशिल्ल्यान ती प्रत्यक्ष वसत्यो आनी गांवां कडेन सुसंगत अश्या पावंड्यांर घेवची. थंय जण एकलो एकामेकांक वळखतात. वन हक्क कायद्याच्या उद्देशीं'ग्राम सभा' आनी गांव ह्यो व्याख्या नेमावळ कलम 2(g) आनी2(p) वरवीं स्पश्ट केल्ल्यो आसात.

## ग्राम पंचायतीन ग्राम सभेची पयली बसका आपयतगीर तिची यजमानकी/अध्यक्षता कोण करतलो? वन हक्क कायद्या खाला सगल्या ग्राम सभांक हाजीर रावपाचें बंधन पंचायत सचिवाक आसता काय?

वन हक्क नेमावळी प्रमाण वन हक्क समिती घडोवपा खातीर आनी प्राथमीक निर्णयां खातीर पंचायतीन ग्राम सभेची पयली बसका आपोवप गरजेचें आसता. ह्या पावंड्यार एक म्हत्वाचो निर्णय म्हळ्यार वन हक्क समितीचे अध्यक्ष आनी सचीव हांची वळख. (वन हक्क नेमावळ नेम3(2) पळयात.)

हे बसकेक पंचायत सचिवाची उपस्थिती सामकी गरजेची. त्या उपरांत वन हक्क समिती आनी ग्राम सभा हांचें काम आनी पंचायत सचिवांची उपस्थिती चालू दवरूं येता. ह्या सगल्या बसकांक पंचायत सचिवाची उपस्थिती गरजेची ना वा कायद्याखाला तशी गरज ना. वन हक्क समितीच्या सचिवान बसकांचें इतिवृत्त तयार करूंक जाय आनी पंचायत सचिवाचे गैरहजरींतफावो तसो ठराव घेवं येता.

## वन हक्काच्या 50% दावेदारांचे उपस्थितीचें कलम(नेम4(2)) कित्याक केलां? उणी लोकसंख्या आशिल्ल्या वाठारांत/राज्यांत असो कोरम पुराय करप कठीण जावचें ना?

2008 वर्सा जेन्ना वन हक्क नेमावळ अधिसूचीत केल्ली तेन्ना ग्राम सभे खातीर दोन तृतियांश हाजरी हो कोरम थारायिल्लो.पूण हो कोरम पुराय करप खूबदां कठीण जाता असो अणभव आयला. म्हण वन हक्क कायद्याच्या नेम4(2) हातूंत संसदेन2012 वर्सा दुरुस्ती केली आनी हो कोरम 50% टक्क्यांचेर हाडून उणो केलो.

निर्णय प्रक्रियेंत चडांत चड पारदर्शकता येवची आनी सहभाग निश्चित जावचो म्हण ग्राम सभेचे बसके खातीर 50% कोरमची गरज आसा. वन हक्क नेमावळीच्या नेम4(2) प्रमाण उपस्थित आशिल्ल्यां मदीं एक तृतियांश महिला आसूंक जाय आनी कमीच ते 50% वन हक्क दावेदार/हक्कधारक आसूंक जाय.

खूबशी राज्यां 1994 च्या कायद्यांतली कोरम पूर्ण करपाची जी गरज आसा ती पुराय करूंक शकनात. जरी अशे प्रकार उणे आसले तरी ती वस्तुस्थिती जावन आसा. कारण ग्राम सभेच्यो बसका पंचायत पावंड्याचेर घेवप जाता. ह्या बसकांक उपस्थित रावपा खातीर वांगड्यांक खूब वेळार भोव कठीण अश्या दोंगरी वाठारांतल्यान चलत येवचें पडटा. पूण वन हक्क कायद्याखाला ग्राम सभेच्यो बसका ह्यो महसूल-गांव आनी वसत्यांच्या पावंड्यार घेतात. म्हंटगीर त्या बसकांक हाजीर रावप सोपें जाता. ताका लागून वन हक्क नेमवळीतली 50% उपस्थितीच्या कामात चडश्यो अडचणी येनात. दरेक घराब्यांतली एकच व्यक्ती अश्या बसकांक हाजीर आसता अशें न्हय. तर घरांतले सगले सज्ञानी मनीस बसकांक वांटेकार जातात.

## वन हक्क कायद्याचें लागूपण

### वन हक्क कायदो खंयच्या वाठाराक लागू जाता? वन हक्क कायदो पुराय राज्याक लागू करप बंधनकारक आसा? काय तो खासा निर्दीश्ट केल्ल्या वाठाराकच लागू करूंक येता?

वन हक्क कायद्याच्या कलम 1(2) मर्दीं जम्मू आनी काश्मीर सोडून हो कायदो पुराय देशभर लागू जाता. वन हक्क कायद्याच्या कलम3(1) हें मान्यताय मेळिल्ले आनी विधीदत्त तरेकवार वन हक्क आनी अधिकार हांचें सविस्तर वर्णन करता.

सर्वोच्च न्यायालयान गोदावर्मन प्रकरणांतल्या इतिहासीक निकालांत अशें स्पश्टपणान म्हळां कीं वन संवर्धन, रानां आनी वनसंपत्ती कायदो 1980च्या कलम2(d) मर्दीं सांगिल्ली 'वन जमीन' हें उतर फक्त शब्दकोशांत दिल्ल्या अर्था प्रमाण 'वन' आसपावचें ना. पूण मालकीविशीं दुर्लक्ष करून सरकारी नोंदींत 'वन' म्हण नोंद केल्लें खंयचेंय क्षेत्र वन संवर्धन आनी राखणे विशींच्या कायद्याचे अंमलबजावणीच्या उद्देशीं 'वन जमीन' हें उतर व्यापक रितीन समजून घेवंक जाय. तसो विधिमान्य कायदो जाल्लो आसा.

वन हक्क कायद्या खाला वन जमीन ह्या उतराची व्याख्या म्हळ्यार-खंयच्याय वन क्षेत्रांतली कसलेंय वर्णन आशिल्ली जमीन आनी तातूंत अवर्गीकृत वनां, शिमो थरायिल्ल्यो नात अशीं रानां, अस्तित्वांत आशिल्लीं वा मानत आयिल्लीं वनां, राखीव जंगलां, अभयारण्यां आनी राष्ट्रीय उद्यानां येतात. ही व्याख्या पयलीं वयर म्हणिल्ल्या प्रमाण सर्वोच्च न्यायालयाच्या निकालाक कांटेकोर रितीन पाळो दिता.

त्या प्रमाण वन जमनीचे व्याख्येंत कार्यक्षेत्रांत आसपाविल्ले जमनींचो आनी भारतीय वन कायदो १९२७ प्रमाण पर्डीग आशिल्ले जमनीचो आसपाव जाता. (पळयात- 25/2/1952 ची क्र. Ft.29-241-BB/49 अधिसुचोवणी वा HP Village Common Lands Vesting and Utilisation Act1974 मदल्यो तरतुदी आनी ताच्या खाला तयार केल्ले नेम- कलम8(1) (a) आनी नेम6(1)(6)).

## राष्ट्रीय उद्यानां, वन्य जीव अभयारण्यां आनी व्याघ्र प्रकल्प हांकां वन हक्क कायदो लागू जाता?

हय. राष्ट्रीय उद्यानां, वन्य जीव अभयारण्यां आनी व्याघ्र प्रकल्प हांकां वन हक्क कायदो लागू जाता. ह्या कायद्याच्या कलम2(d) खाला वन जमनीची व्याख्या करतना'खंयच्याय तरेच्या वर्णनाची जमीन' अशी करता म्हण खंयच्याय वनक्षेत्रांत आसपाविल्लीं राष्ट्रीय उद्यानां आनी वन्य जीव अभयारण्यां.... हांचो आसपाव ह्या क्षेत्रांत जाता.

फक्त पयलीं सावन ज्यो पात्र व्यक्ती वन्य जीव अभयारण्यां आनी व्याघ्र प्रकल्पाच्या वाठारांत जमनीचो वापर करीत आयल्यात तांचोच हक्क , वन हक्क कायदो मानून घेता आनी त्या हक्कांक राखण दिता. त्या हक्क राखणे शिवाय कसलेच नवे हक्क निर्माण करनात. कारण ह्या राखीव क्षेत्रांतल्या पर्यावरणीय संतुलनाचेर परिणाम जावंक शकता.

जंय अश्या वन हक्कांक लागून वन्य जिवांचे अतोनात नुकसान जावपाची शक्यताय आसा थंय वन हक्क कायदो गंभीर वन्य जीव अधिवासाची(CWH) निर्मणी करपाक मान्यताय दिता. तेच परी अश्या(CWH) अंतर्गत लोकशाही आनी पारदर्शक प्रक्रिये वरवीं वन्य जीव राखणे खातीर अलिप्त/पवित्र

क्षेत्र निर्मणेची तरतूद ह्या वन हक्क कायद्यांत आसा. (पळयात- कलम4(2).)

## चडश्या नॅशनल पार्कां मदीं लोकांनी उपभोगीत आयिल्ल्या सगल्या हक्क/अधिकारांची पूर्तताय केल्या उपरांतच निमाण्यो अधिसुचोवण्यो काडल्यात. वन हक्क कायद्याखाला त्या जमनी विशींच्या अधिकारांची परतून निपटावणी करप गरजेचें आसा व्हय?

वन हक्क कायद्याचे प्रस्तावनेंतच म्हणिल्ल्या प्रमाण(ब्रिटीश) वसहतकाळांत त्याच प्रमाण स्वतंत्र भारतांत राज्यांतल्या वनांच्या एकठावीकरणांत पयलीं सावन अस्तित्वांत आशिल्ल्या वन आनी वन्य जीव कायद्याखाला वन हक्कांक/अधिकारांक फावो तशी मान्यताय दिल्ली नाशिल्ली. वन हक्क कायद्याचें मूलभूत पूर्व-विधान म्हळ्यार वन निवासी समुदायांचो कार्यकाळ आनी प्रवेश हक्कांच्या दीर्घ काळाचे असुरक्षिततेचो विचार करून आजवेर जाल्लो इतिहासीक अन्याय सुधारप असो आसा. वसाहत काळांतल्या कायद्याखाला वन हक्कांचे निराकरण, डिमिंग क्लॉज, कायदेशीर कल्पना आनी गृहीतकांच्या माध्यमांतल्यान जाल्ली आसा, तेच परी खूबश्या वाठारांत ती जाल्लीच ना, ही वस्तुस्थिती वन हक्क कायदो मानून घेता. एखाद्या खाशेल्या राष्ट्रीय उद्यानांत वा हेर वनक्षेत्रांत निमाणी अधिसुचोवणी जारी केल्या. ताका लागून अश्या वन-जमनी मदल्या वन हक्कांचें पुनर्परिक्षण करपाक प्रतिबंध करूंक जावचो ना.

प्रस्तावनेंत मुखार म्हणिल्ल्या प्रमाण वन हक्क कायदो अश्या पूर्व विधानाचेर आसा कीं, रानां-वनांनी रावपी समुदाय हे वन परिसंस्थेचें अस्तित्व राखपाक आनी ती तिगून उरपा खातीर अविभाज्य घटक जावन आसात. म्हणच हो कायदो अश्या समुदायांक सासणाच्या वापरा खातीर, जैव विविधतेचें संवर्धन आनी देखरेखी खातीर जापसालदारकी दिवन गुंतवणूक करता आनी पर्यावरणीय समतोल राखता. म्हण पयलीं सावन आशिल्ल्या वन आनी वन्य जीव कायद्यांक लागून जाल्ले नुकसानेची भरपाय दिवन नुकसानी सासणाची थांबयता आनी वन हक्कांचें सुटावेपण करपाचो यत्न करता. अशे तरेन वन

हक्क  कायदो वन हक्क मानून घेवन ते चालीक लावपाचो यत्न करता. ताका लागून वन निवासी समुदायांची उपजीविका आनी अन्न सुरक्षा सुनिश्चित जावंक पावतली. कायद्याचे व्याख्ये प्रमाण नॅशनल पार्क हे संरचनेंत आसपावतात.

### नगर पालिका वाठाराक वन हक्क कायदो लागू जाता?

वन हक्क कायद्याचे कलम 1(2) वाचतनाच कळटा कीं, हे कायदो जम्मू आनी काश्मीर सोडून पुराय भारतभर लागू जाता. तांतल्यान हेर खंयचोय वाठार वगळूंक ना.

वन हक्क कायद्याचें कलम 2(d) वन जमीन ह्या उतराचो व्यापक अर्थ सांगता. तो म्हळ्यार'खंयच्याय वनक्षेत्रा खाला येवपी खंयचेय तरेच्या वर्णनाची जमीन' वन जमनीची ही व्याख्या सर्वोच्च न्यायालयान गोदावर्मन खटल्यांत 12.12.1996 दिसा दिल्ल्या निकालांत स्पश्ट केल्या.[३] ती कायद्यांत रुपांतरीत जाल्या. वन हक्क कायदो खंयच्याय वाठारांत रावपी दावेदारांच्या वन जमनीक लागू जाता. म्हंटगीर नगर पालिका वाठार ताका आडवाद थरूंक शकना.

आदिवासी वेव्हार मंत्रालयान ह्या संबंधान स्पश्टीकरण दिवपी पत्र 29 एप्रिल 2013 ह्या दिसा (क्र.F.No. 19020/02/2012 - FRA) आनी 5 मार्च 2015 दिसा (क्र.F.No. 19020/02/2012 - FRA (Vol II) जारी करून ह्या संदर्भांतलो गोंदळ सोंपयला.

## वन निवासी अनुसूचीत जमाती(FDSTs) आनी हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFDs) खातीर पात्रताय.

### वन हक्क कायद्या खाला वन निवासी अनुसूचीत जमातीक हक्क सांगपा खातीर खंयचे निकश आनी पुरावे गरजेचे आसतात?

वन हक्क कायद्या खाला कलम 2(c) प्रमाण वन निवासी अनुसूचीत जमात म्हण पात्र जावपा खातीर वन हक्क कायद्या प्रमाण हक्क  सांगपाक पात्र जावपा खातीर जमातीच्या वांगडी अर्जदारान तीन अटी

पूर्ण करूंक जाय.

1. ज्या वाठारांत हक्क सांगला थंय अनुसूचीत जमात राबितो करून आसूंक जाय

2. मुख्यतः13/12/2005 पयलीं सावन वनांत वा वन जमनींत राबितो केल्लो आसूंक जाय आनी

3. उपजीविकेच्या वास्तवीक गरजां खातीर वन आनी वन जमनीचेर अवलंबून आसूंक जाय.

ज्यो अनुसूचीत जमातीच्यो व्यक्ती राज्यांत अनुसूचीत नाशिल्ल्या वाठारांत स्थलांतरीत जाल्यात त्यो वन निवासी अनुसूचीत जमाती म्हण हक्क मागूंक शकतात?

FDT म्हण वन हक्कां खातीर दावो करपी व्यक्ती वन हक्क कायद्या खाला दावेदार हो संबंधित अनुसूचीत वाठारांतलो अनुसूचीत जमाती मदलो आसूंक जाय. कांय राज्यांत, एखाद्या व्यक्तीचो अनुसूचीत जमातीचो दर्जो त्या राज्यांतल्या विशिश्ट वाठार वा जिल्ह्या पुरतो मर्यादीत आसता. संविधानाच्या(अनुसूचीत जमाती) आदेश1950 प्रमाण अनुसूचीत जमाती पुराय राज्यांनी तांचो दर्जो मानून घेतात. फक्त तांच्या राबित्याच्या वाठारा खातीर वा अनुसूचीत क्षेत्रा खातीर वा हेर खंयच्याय भूगोलीक थळा पुरतो तो दर्जो मर्यादीत ना.

देखीक हिमाचल प्रदेश राज्यांत लाहुल आनी स्पिती(जीं अनुसूचीत क्षेत्रां जावन आसात) थंयचे अनुसूचीत जमातीचे जे वांगडी कुल्लू जिल्ह्याच्या मनाली वाठारांत गेल्यात(अनुसूचीत क्षेत्र नाशिल्लो वाठार) तांचो राष्ट्रपतीचो 1950चो आदेश(सुप्रा) खाला अनुसूचीत दर्जो चालूच आसता. ताणीं आपल्या राबित्याचें थळ बदललें म्हण तांचो अनुसूचीत जमातीचो दर्जो बदलना.

## वन हक्क कायद्या खाला हेर पारंपरीक वन निवासी (OTFD) हक्क सांगपा खातीर कसले निकश आनी पुरावे गरजेचे आसतात?

वन हक्क कायद्या खाला OTFD हक्क सांगपा खातीर पात्र जावपाक दोन अटी लागतात.

१. म्हत्वाचे म्हळ्यार 13/12/2005 पयलीं तीन पिळग्यां सावन (75 वर्सां) मुख्यतः वन जमनीत राबितो केल्लो आसूंक जाय आनी

२. वास्तव उपजिविकेच्या गरजां खातीर रानांत वा रानवटी जमनीचेर अवलंबून आसूंक जाय.

आनीक एक गजाल मतींत दवरपाक जाय. ती म्हळ्यार कलम2(0) प्रमाण जर OTFD गांव कायद्यान मानून घेतलां जाल्यार त्या समुदायांतल्या खंयच्याय वांगड्याक स्वतंत्र पणान पात्रताय दाखोवपाची गरज ना.

## वन हक्क कायद्या खाला OTFDs ची पात्रताय प्रस्थापीत करपा खातीर कसले कागदोपत्री पुरावे लागतात?

वन हक्क कायद्या खाला OTFD दर्ज्या खातीर 13 डिसेंबर 2005 पयलीं तीन पिळग्यां सावन 74 वर्सां जमनीचो ताबो आशिल्ल्याचे पुरावे दिले नात म्हण राज्यां दावे नाकारतात. पूण तें कायद्याचे नदरेन समा न्हय. 13 डिसेंबर 2005 पयलीं तीन पिळग्यां सावन(75 वर्सां) वन जमीन ताब्यांत आसूंक जाय अशें वन हक्क कायदो म्हण्टा अशें म्हणप चुकीचें जावन आसा.

कलम 2(0) खाला13 डिसेंबर 2005 पयलीं तीन पिळग्यां सावन(75 वर्सां) वन जमनींत राबितो केल्लो आसूंक जाय आनी ताच्या उपजीविकेच्या वास्तव गरजां खातीर रानांचेर अवलंबून आसूंक जाय अशी कायदेशीर गरज पात्रताये खातीर लागता अश्या समुदायाच्या खंयच्याय वांगड्याक OTFD दर्जो फावता.

एकदां पात्रतायेचो हो निकश पूर्ण जातगीर कायद्यांत अशीय तरतूद आसा, त्या प्रमाण कलम 4 खाला निवासी अनुसूचीत जमाती(FDSTs) आनी हेर पारंपारीक वन निवासी(OTFDs) हांचे मदीं दावे निकालांत काडटना भेदाभेद करनात.

दावे करतना नेम 13 मदीं सांगिल्ले खंयचेय दोन पुरावे दिल्यार पुरो. दाव्याच्या विचारा खातीर विशिश्ट कागदोपत्री पुराव्याचो आग्रो धरप हें बेकायदेशीर आसा असो निकाल गुजरात हायकोर्टान आर्च वाहिनी विरुद्ध गुजरात सरकार आनी हेर हांच्या खटल्यांत दिल्लो आसा.[4]

## वन हक्क कायद्या खाला OTFDs दर्जो दिवपाचे पात्रताये खातीर म्हणिल्ल्या 'प्रामुख्यान वनांत वा वन जमनींत राबितो केल्लो आसूंक जाय' ह्या वाक्याचो अर्थ कितें?

'प्रामुख्यान वनांत वा वन जमनींत राबितो करप' म्हळ्यार वेवसाय न्हय.जंय दावो केला, थंय 75 वर्सां राबित्याचो पुरावो दिवप आनी सध्या थंयचे वन जमनीचेर अवलंबून आसल्यार OTFD दर्जो दिवपाक पुरो. 'प्रामुख्यान राबितो करप' हाचें स्पश्टीकरण आदिवासी कार्य मंत्रालयान 9.6.2008 दिसाच्या परिपत्रक क्रमांक.No/17014/02/2007-पीसी अँड व्ही(व्होल्यूम.II) वरवीं दिलां.ताचो तपशील असो

ज्यो अनुसूचीत जमाती आनी हेर पारंपारीक वनवासी- जे जंगलांत राबीतो करून नासतले पूण तांचे प्रामाणिक उपजीविके खातीरच्या गरजांक जंगलांचेर अवलंबून आसात तांकां कलम2(c) आनी2(0) प्रमाण वन निवासी अनुसूचीत जमाती आनी हेर पारंपारीक वन निवासी म्हण आसपाव जातलो. ही गजाल अनुसूचीत जमाती आनी हेर पारंपारीक वनवासी(वन हक्कांची मान्यताय) अधिनियम2006 च्या कलम 2(c) आनी2(0) प्रमाण मानून घेतल्या.

म्हत्वाचें म्हळ्यार 75 वर्सां मदीं खंड पडपाक दिना आसतना वन हक्काचो पुरावो प्रस्थापीत करप गरजेचें ना. दावेदारा खातीर भोव कठीण अशें हें वजें थरतलें, आनी कायद्याचो हेतूय तसो ना.

## 1950च्या दसकांत देशांतलीं जंगलां/वनां अधिसूचीत केल्यांत. जेन्ना जंगलांच 50वा 60वर्सांची जावन आसात, अशे परिस्थितींत OTFDs आपलो मुखेल राबितो फाटल्या 75 वर्सां सावन आसा अशें कशें प्रस्थापीत करतले?

म्हत्वाची गजार म्हळ्यार एखादी अधिसुचोवणी काडिल्ली आसत जाल्यार, वन हक्क कायद्या खाला OTFDsची पात्रताय मानून घेवपाक ते अधिसुचोवणेची तारीख ही निकश जावंक शकना. उरफाटें तशें करप असंबद्ध जावन आसा. कारण वन हक्क कायदो होफक्त अधिसूचीत आनी वर्गीकृत जंगलांकच

लागू पडता. तो सर्वोच्च न्यायालयान परिभाशीत केल्ल्या प्रमाण शब्दकोशांतल्या सगल्या तरांच्या जंगलाक सुद्धां लागू जाता. जंगलांचे राखणे खातीर कसलीच कायदेशीर वेवस्था अस्तित्वांत येवच्या पयलीं शेंकड्यानी वर्सां सावन देशांत जंगलां अस्तित्वांत आसात.

OTFDs ची पात्रताय प्रस्थापीत करपा खातीर नेम 13 (तोंडी गवाय आनी भौतीक पुराव्या सयत) मदीं दिल्ले वळेरींतले दोन वाचड पुरावे दिवंक शकतात. त्या खातीर भारताच्या जन गणने(सेंसस) मदली म्हायती दिवप बंधनकारक ना.

## जर दावेदार(आनी तांचे पूर्वज) पयलेचीं 50 वर्सां. एका गांवांत रावताले, आनी उपरांतचीं 25 वर्सां दुसऱ्या गावांत रावतात. जाल्यार पात्रताये खातीर 75 वर्सांच्या राबित्याचो दावो करूं येता?

वन हक्क कायद्याच्या कलम 2(0) प्रमाण दावेदारान आनी ताच्या पूर्वजांनी त्याच गांवांत 75 वर्सांचो तांचो राबितो सिद्ध करपाची गरज ना. हेंवय स्पश्ट करप गरजेचें आसा, तें म्हळ्यार एक विशिश्ट समुदाय हो वन निवसी समुदायजावन आसा ही वस्तुस्थिती ताणे प्रस्थापीत करूंक जाय. तशें केल्या उपरांत दरेक दावेदाराक वैयक्तीक रितीन तशें सिद्ध करपाची गरज ना.

## वन हक्क कायद्याच्या कलम 2(c) आनी (0) मदीं'उपजिविकेच्या गरजां खातीर प्रमाणिकपणान जंगलां आनी वन जमनींचेर अवलंबून रावप' हाचो अर्थ कितें?

वन हक्क कायद्याच्या नेम 2(1) (b) मदीं'उपजीविकेच्यो प्रामाणिक गरजो' ह्या उतरांचे केल्लें स्पश्टीकरण मुखार दिल्ल्या प्रमाणः

'उपजीविकेच्यो प्रमाणिक गरजो' कायद्याचो कलम3 उपविभाग मदीं केल्ले व्याख्ये प्रमाण स्वताचे आनी घराब्याचे उपजीविके खातीर कायद्यांत मेळल्लिया हक्कां प्रमाण शारीरिक कसरती वरवीं गरजो पुराय करप. त्याच प्रमाण घराब्या खातीर वापरून उरिल्लें उत्पन्न विकप हाचोय आसपाव जाता.

ही व्याख्या उपजीविकेच्यो प्रमाणिक गरजो ह्या उतराची घेतिल्ली फक्त जगपा पुरतें वावुरप ही चुकीची संकल्पना आसा हें स्पश्ट करता. पुराय वन हक्क कायदो आनी वन हक्क नेमावळीन जंगलात रावपी समुदायफक्त निर्वाहा पुरतेच मर्यादीत नात हें स्पश्टपणान मानून घेतलां. हे समुदाय निरोगी आनी परिपूर्ण जीवनमाना खातीरय पात्र आसात हें हो कायदो मानता. खरें म्हळ्यार कलम2(c) आनी (0) वाचतगीर प्रायमरीली(प्रामुख्यान हे उतर) रिसायडेड(राबितो करून आशिल्ले रहिवासी वा निवासी) म्हण पात्र थारायता. 'जंगल आनी वन जमनीचेर अवलंबून आसात' ही पात्रतायेची गरज थारना.

एखाद्या राज्याचे जमनीचो एक व्हडलो वांटो वन जमीन म्हण वर्गीकृत केल्ल्यान थंयचे लोक संख्येची टक्केवारी वास्तवीक उपजीविकेच्या गरजां खातीर जंगलांचेर अवलंबून आशिल्ल्यान OTFD  दावेदार अपात्र थरना.

## जी व्यक्त कायम स्वरूपी वा सरकारी नोकरदार आसा ती व्यक्ती हेर पारंपारीक वन निवासी म्हण अपात्र थरता अशी तरतूदएखादें राज्य सरकार करूंक शकता?

वन निवासी फक्त वा प्रामुख्यान तांचे उपजीविके खातीर जंगलांचेर अवलंबून आसूंकच जाय वा ज्यो व्यक्तीच्या घराब्याचें उत्पन्न हेर स्त्रोतां वरवीं मेळटा तांकां अपात्र थारावपाची तरतूद कायद्यांत ना. एखादो घराबो तांच्या उपजीविकेच्या गरजां खातीर वन हक्कांचेर जसो तो अवलंबून आसता, तशेंच सरकारी नोकरी वा पगाराच्या उत्पन्ना वरवीं तांच्या घराब्याच्या उत्पन्नाक पूरक आसूंक शकता. खरें म्हळ्यार अशें खूबशे घराबे आसात जंय एक वा चड प्रौढ व्यक्ती पगाराची नोकरी करतात. ते नोकरेक लागून तांकां शारांत रावचें पडटा. पूण घराब्यांतले हेर वांगडी गावांतच रावतात आनी जंगलां आनी वन-उत्पन्नां विशीं आशिल्ल्या गुंतागुंतीच्या आनी सासणाच्या नाते-संबंधांक लागून तिगून उरतात.

## जंय एक जोडीदार सरकारी नोकर म्हण काम करता आनी ताचें सगलें कुटुंब गांवांतच रावता, वन हक्क कायद्या खाला असलो घराबो दावो सांगपाक पात्र थरता?

अशी परिस्थिती खूबदां उपरासता, जंय एकलो जोडीदार सरकारी नोकर आसता वा पगारी मनीस आसता आनी दुसरो जोडीदार आपल्या कुटुंबांतल्या हेर वांगड्यां सयत गावांत रावता. अशे व्यक्तीक वन हक्क नाकारप म्हळ्यार उफाटें वन हक्क कायद्याच्या मूळ हेतू आनी उद्देशाची पायमल्ली थरता. म्हणच वन हक्क कायदो घराब्यांतले हेर वांगडी पात्रतेचे निकश पूर्ण करतात अश्या दावेदारांच्या वन हक्कांच्या मान्यतायेचेर कसलोच वैधानीक प्रतिबंध घालना. दावेदार हो एक व्यक्ती, कुटुंब, समुदाय वा ग्राम सभा आसूंक शकता. कुटुंबांतली एक व्यक्ती वनवासी म्हण अपात्र थरल्यार ताचो अर्थ निकश पूर्ण करपी हेर वांगडी तांच्या हक्कांचो दावो करूंक शकनात असो जायना.

## महसूल जमनींत रावपी अशे गांवगिऱ्या वाठारांतले जनावरांक चरवा खातीर भोंवपी भटके समुदाय'मुख्यतः जंगलांत रावनात' तांची वन हक्क कायद्याच्या संदर्भांत कितें परिस्थिती आसा?

वन जमनीत चरवाचो हक्क आशिल्ले लोक फक्त महसूली जमनींत रावतात म्हण ते वन हक्क कायद्या खाला अपात्र थरनात. कलम2(व) वरवीं वन जमनीची व्यापक व्याख्या ह्या कायद्यान केल्ली आसा. त्या भायर कायद्याच्या कलम3(1) (d) वरवीं गवळी समुदाय/भोंवडीं करपी समुदाय(भटके) हांच्या हक्कांचे राखणे खातीर तरतूद केल्ली आसा ती मुखार दिल्ल्या प्रमाण-

'(d) समुदायांचे वापरा खातीरचे हेर हक्क आनी हकदारी जशे जनवरांक चरोवप(दोनय-राबितो करून आशिल्ले आनी विमुक्त भटके) पारंपारीक हंगामी संसाधनां खातीर रिगाव' हिमालयीन वाठारांतले चडशे पशूपालक समुदाय अर्द-भटके जावन आसात. म्हळ्यार तांचो राबितो महसूलाच्या जमनीचेर आशिल्ल्या गांवांत आसता. थंय ते शेतकामय करतात. त्याच प्रमाण हंगामांत जो तांचो पारंपारीक

गवळ्यांचो वेवसाय आसा तातूंत ते वावुरतात. वन हक्क कायदो स्पश्टपणान असल्या समुदायांच्या खेडवळ जिणेचो आनी पारंपारीक पद्धतींचो आसपाव करपा खातीर विचार करता.

## अश्या खेडवळ, गवळी समुदायांक तांचे वन हक्क दावे दाखल करपा खातीर खंयची/च्यो ग्राम सभा गरजेच्यो आसात?

तांच्या स्वताचे ग्राम सभे मुखार तांच्यानी दावे दाखल करूं येतात. वेगवेगळ्या गांवांतल्यान जंगलांत परंपरेन तात्पुरतीं जनावरां चरोवपाचो हक्क बजायता जाल्यार ताणी सगल्या संबंधित ग्राम सभां मुखार आपले दावे मांडूंक जाय. ते वन हक्क नेमांच्या12(1) (c) प्रमाण पारंपारीक समुदाय संस्थां वरवीं समुदाय म्हण दावे करूंक शकतात. पूण वन हक्क समितीन पशू पालक आनी भटक्या जमातीचे हक्क थारावपाचे दावे जेन्ना त्यो व्यक्ती, समुदाय वा तांचे प्रतिनिधी हाजीर आसतात तेन्नाच तांची पडताळणीकरतले हें वन हक्क समितीन पयलें स्पश्टपणान थारावंक जाय. ताच्या गैरहाजरींत ह्या अधिकारांचेर/हक्कांचेर कसलोच निर्णय घेवचो न्हय.

भटक्या विमुक्तांचे दावे उपरांत एखाद्या विशिश्ट गांवाचे रहिवासी आशिल्ल्या लोकां कडल्यान दाखल करपय शक्य आसा. हाचें कारण एकच, तें म्हळ्यार भटक्या समुदायांक एके सुवाते वयल्यान दुसरे सुवातेर वचपाक पडटा. ताका लागून थरयिल्ले कालावधींतच असले दावे दाखल करचे पडटात ही गरज तांकां खबर नासता. असले दावे विचारांत घेतना वन हक्क समितीन ते मुदत जातगीर पावल्यात हे सबबीचेर नाकरूं नयेत.

# खासा आघातक्षम आदिवासी पंगड (PVTGs)

## खासा आघातक्षम आदिवासी पंगडांच्या संदर्भांत (PVTGs) अधिवास उतराचो अर्थ कितें?

वन हक्क कायद्याचें कलम 2(h) अधिवासाची व्याख्या स्पश्टपणान मांडटा, आनी कलम 3(1)(e) अश्या

अधिवासाच्या वन हक्कांचें वर्णन करता. तरीकय वन हक्क कायद्याचो हिंदी अणकारांत'वसती' ह्या उतराचो अणकार करतना 'आवास' हें उतर वापरलां. ताचो अर्थ घर वा वसती अशें सामान्यतः धरतात. ताका लागून खूबश्या राज्यांत चुकीचे पद्धतीन'निवास' ह्या उतराचो अर्थ इंदिरा आवास येवजणे सारकी घर-निर्मणेची सुविधा पुरोवप आसो लायिल्ल्यान खूबच गोंदळ जाला.

हो गोंदळ पयसावपा खातीर आदिवासी कार्य मंत्रालयान 23/4/2015 ह्या दिसा क्रमांक 23011/16/2015-FRA ह्या परिपत्रका वरवीं अशे तरेन अर्थ लावप हें चुकीचें आसा अशें स्पश्टीकरण केलां. आघातक्षम आदिवासी पंगड(PVTGs) वापरतात त्या प्रचलीत अधिवास आनी वसतीच्या सामुदायीक कार्यकाळाचो अधिकारच न्हय तर तातूंत सामाजीक, अर्थीक, अध्यात्मिक, पवित्र, धार्मिक आनी हेर उद्देश आसपावतात अशें स्पश्ट केलां.

## वन हक्क कायद्या खाला खासा आघातक्षम आदिवासी पंगडांच्या(PVTGs) अधिवास अधिकारांत महसूली जमनींचो आसपाव जावंक शकता?

वन हक्क कायद्याच्या कलम 2(d) खाला परिभाशीत केल्ल्या प्रमाण वन जमनींचेर रावपी वन निवासी अनुसूचीत जमाती(FDSTs) आनी हेर पारंपारीक वन निवासी(OTFDs) हांचे वन हक्क सुरक्षीत दवरता. गोदावर्मन प्रकरणांत 5 सर्वोच्च न्यायालयान दिल्ल्या निकालांत जी'वन जमनीची' व्याख्या केल्या ती शक्य तितल्या व्यापक रितीन वन हक्क कायद्यान आपणायल्या म्हण अवर्गीकृत जंगलां, शिमो थारावंक नाशिल्लीं जंगलां, अस्तित्वांत आशिल्लीं वा मानिल्लीं जंगलां जीं महसूली जमनींचेर आसात तीं सुद्धां वन हक्क कायद्या प्रमाण जंगलांच जावन आसात. ताचो परिणाम म्हळ्यार PVTGs च्या अधिवासाचो आसपाव आशिल्ली वन जमीन जी अधिसूचीत जंगलां(सरकारी नोंदींत आशिल्लीं) आनी शब्दकोशांतल्या अर्था प्रमाण आशिल्लीं जंगलां सुद्धां(जीं महसूली जमनींचेर वा हेर तरांच्या जमनींचेर आसात) तातूंत आसपावतात. नोंदणी केल्लीं जंगलां आनी वन हक्क कायद्या खाला केल्ले व्याख्येंत येवपी सगल्या तरांचीं जंगलां महसूल विभागाच्या शासकीय नियंत्रणां खाला आशिल्लीं

महसूली जमनी वयलीं जंगलां हीं खासा आघातक्षम आदिवासी पंगडांच्या(PVTGs) अधिवास हक्काक लागू पडटात.

जर PVTG च्या अधिवासाचें क्षेत्र (वा ताचो कांय भाग) वन जमनीचे विस्तारीत व्याख्येंत बसना जाल्यार वन हक्क कायद्या खाला त्या अधिवासाचे हक्क मानून घेवंक मेळनात. पूण ते अधिकार संबंधित राज्य सरकाराच्या महसूल नेमां खाला वा PESA मदले संबंधित तरतुदी प्रमाण मान्य करूंक जातात.

## एका परस चड ग्राम सभांक लागपी अधिवास आनी खासा PVTGs हांचे अधिकारांचे दावे आनी अधिवास हक्क कशे हाताळप?

वन हक्क कायदो कलम 2(h) 'अधिवास' उतराची स्पश्ट व्याख्या सांगता. त्याच प्रमाण कलम3(1) (e) असल्या अधिवासांचे वन अधिकार स्पश्ट करून सांगता. वन हक्क नेमावळीचो नेम12(1)(d) प्रमाण वन हक्क समितीन PVTGs चे दावे तपासतना संबंधित समुदाय वा तांचे प्रतिनिधी हाजीर आसात हाची खातरजमा करपाचें बंधन येता.

त्याच प्रमाण समुदायाच्या अधिवासाच्या कार्यकाळाचे आनी वाठाराचे अधिकार जे PVTG आजवेर वसत्यां खातीर प्रचलीत रितीन भोगत आयल्यात ते सामाजीक, अर्थीक, आध्यात्मिक, सांस्कृतीक आनी हेर उद्देशां खातीर जावन आसात. थोड्या कडांनीPVTGs चे अधिवास हेर लोक/समुदाय हांच्या वन अधिकार आनी हेर हक्क अति व्यापी थरूंक शकतात.

वन हक्क नेमावळ(जी6. 9. 2012 ह्या दिसा सुदारल्या) ताच्या नेम8 खाला जिल्हो पावंड्या वयल्या समितीची(DLC) भूमिका स्पश्ट केल्या.ते प्रमाण PVTGs आनी हेर आघातक्षम समुदाय मतींत घेवन वन हक्क कायद्याचो हेतू मुखार दवरल्याची खात्री करून हक्कांचे दावे निकालांत काडपाचे आसतात.

PVTGs ची तरेकवार आघातक्षमता मतींत घेवन, जिल्हो पावंड्या वयल्या समितींनी(DLCs)

PVTGsच्या पारंपारीक संस्थां कडेन भासाभास करून तांचे अधिकार मानून घेवपाची प्रक्रिया सुरू करपाची भूमीका बजावपाक जाय. आनी तांचे हक्कां विशींचे दावे संबंधित ग्राम सभांच्या मुखार येतले हाची खात्री करून घेवंक जाय. हो हेतू साध्य करपा खातीर तांच्या ग्राम सभांचें घोळटेपण मतींत दवरूंक जाय. हाचो पुनरूच्चार आदिवासी कार्य मंत्रालयान आपल्या23/4/2015 दिसाच्या क्र.23011/16/2015- FRA ह्या परित्रका वरवीं केला.

जंय PVTGs चे दावे पयलींच दाखल केल्ले आसात थंय जिल्हो पावंड्या वयल्या समितींनी दाव्यांच्या वाठाराच्या नकाशां सयत तांचे दावे मानून घेवपाची खात्री करून घेवंक जाय.

## किरकोळ वन उत्पादनां(MFPs)

### कांय राज्यां/वाठार हांगा किरकोळ वन उत्पादनाचे(MFPs) अधिकार पयलींच भारतीय वन कायद्या खाला वन वसणूंकांक दिल्ले आसात. वन हक्क कायद्या खाला किरकोळ वन उत्पादनाचे सामुदायीक अधिकार संबंधित राज्यां आनी वाठार हांकां फावतात?

कांय राज्यांत वन वसणुको 20व्या शेंकड्याच्या आरंबाक केल्ल्यो. फाटल्या शंबर वर्सां परस चड काळ जावन गेला. थंय किरकोळ वन उत्पादनां खातीर रिगावाचें स्वरूप आनी संबंधित मनशांचे स्वरूप हातूंत व्हडलो बदल जाला. जमनीच्या वापरा संबंधी प्राधान्य आनी दबाव हाका लागून खूप बदल जाला. इतलेंच न्हय तर हे अधिकार सरकारी नोंदीत आनी वसणूकांच्या नोंदींत आसपावन घेतना हो अधिकार वापरपी लोकां कडेन मालकी-हक्कां संबंधित कागदपत्रां चड करून नासतात. हेर राज्यांनी/वाठारांत वन वसणूको अपूर्ण आसात. ताका लागून अनिश्चितपणा आनी असुरक्षितता निर्माण जाता.

वन हक्क कायदो कलम 3(1) (b), (c), (d) (g) पयलीं अस्तित्वांत आशिल्ल्या वन हक्कांक मान्यताय दिता. विशेशतः कलम3(1)(1) आनी(j) खंयच्याय राज्याच्या कायद्या खाला आनी पारंपारीक चालंत

कार्य पद्धती वरवीं चलत आयिल्ले वन हक्क मानून घेवपाची तरतूद करता. निमाणे कलम3(1) (i) तांच्या ग्राम सभांक सामुदायीक वन स्रोतांची राखण, पुनर्निर्मणी, संवर्धन आनी वेवस्थापन करपाचे अधिकार दिता.

वन हक्क कायदो आनी वन हक्क नेमावळी खाला एकदांचे हे अधिकार मानून घेतल्या उपरांत तरेकवार हक्क आनी लागणूको हांचो ओघ सुरू जाता. तातूंत नेम4(1) (e) प्रमाण रानां, वन्य जीव, जल-स्त्रोत आनी सैमीक संसाधनां हांची राखण आनी संवर्धन समिती घडोवची पडटा. दुसरे वटेन भारतीय वन कायदो खास करून किरकोळ वन उत्पादन(MFP) विशीं स्पश्टपणान ताचें स्वरूप आनी आवांठ सांगता. वन हक्क कायद्यान मेळोवन दिल्ल्या प्रमाण हेर वन निवर्सीचे हेर सहगामी हक्क, जापसालदारकी आनी अधिकार वनवासीं मदीं आसतलेच अशें ना.

हेर राज्यांनी जंय राज्य कायद्याखाला वा हेर खंयच्याय राज्यांतले पारंपारीक चालंत कार्य पद्धती प्रमाण मान्यताय दिल्ली आसा थंय अशीच परिस्थिती आसा. देखीक छोटा नागपूर टेनंसी ॲक्ट, 1908 आनी झारखंडचो संथाळ परगणा टेनंसी ॲक्ट 1949 हे वन हक्क कायद्याच्या वर्णनांत बसपी अश्या कितल्याश्या अधिकारांक मानून घेतात. राज्य घटनेच्या सव्या अनुसूची खाला क्षेत्रां आशिल्ल्या राज्यांत स्वायत्त जिल्हो परिशदांनी वन हक्क मानपाक खासा कायदे केल्यात. वन हक्क कायद्यांत हे अधिकार/हक्क वन हक्कांचे व्याख्येंत आसपावन घेतल्यात.

## वन हक्क कायद्याचें कलम 3(1) (c) किरकोळ वन उत्पादनाचे (MFP) अधिकार वन निवासी अनुसूचीत जमाती (FDSTs) आनी हेर पारंपारीक वन निवासी(OTFDs) हांकां प्रदान करता. राज्याच्या वन कायद्यांत आशिल्ले बांबू आनी हेर राष्ट्रीयकृत वन उत्पादनांचे मालकी हक्क , वन हक्क कायद्या मदीं येतात?

हय. सगलीं किरकोळ वन उत्पादनां(MFP) आनी बांबू त्याच प्रमाण हेर राष्ट्रीयकृत जंगल उत्पादनांचो

मालकी हक्क वन निवासी STs आनी OTFDs हांका वन हक्क कायद्याखाला जर दावो सांगला जाल्यार मेळटा.

वन हक्क कायद्याचें कलम 2(i) स्पश्टपणान'किरकोळ वन उत्पादनांची' व्याख्या करता. ते प्रमाण मदेराचें लाकूड सोडून बांबू, तेंडू वा केंडूचीं पानां आनी हेर हांचो तातूंत आसपाव जाता. त्याच प्रमाण त्या जंगलांतलो रिगाव सगलीं किरकोळ उत्पादनां(MFP) एकठांय करप, तांचो वापर करप आनी विलो लावप हाचे मालकी हक्क ह्या कायद्यांतले व्याख्ये प्रमाण वन निवासी अनुसूचीत जमाती (FDSTs) आनी हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFDs) हांकां स्पश्टपणान मालकी हक्क दिता. (पळयातः कायद्याचें कलम३(१) (ल))

## किरकोळ वन उत्पादनांचे(MFPs) अधिकार व्यक्ती, व्यक्तींचे पंगड वा ग्रामसभेक दिवंक शकतात?

हे बाबतींत एक गैरसमज जावन आसा तो म्हळ्यार ह्या कायद्याचें कलम 3(1)(a) प्रमाण वन हक्कफक्त व्यक्तीकच दिवप शक्य आसा आनी कलम3(1) (b) ते (m) प्रमाण हेर उरिल्ले अधिकार ग्राम सभेक आसूंक शकतात. ही एक गैरसमजूत जावन आसा. वन हक्क कायद्याचें कलम3(1) प्रमाण सगले वन हक्क' सुरक्षीत व्यक्ती, सामुदायीक कार्यकाळ वा दोगांकय आसात' अशें सूचीबद्ध केलां. अशे तरेन कलम3(1) खाला अधिकार कोणाकच दिवपाक आडखळ जायना. किरकोळ वन उत्पादनांचे(MFP) वन अधिकार एखादे व्यक्तीक, व्यक्तींच्या पंगडाक वा उत्पादनांचो वापर करपी व्यक्तींचो समुदाय वा ग्राम सभा हांकां जो मेरेन हे दिल्ले अधिकार/हक्क स्वताच्या स्वरूपाक बादा हाडीनात तो मेरेन पुरायेन आसतात. जशे वन हक्क कायद्याचें कलम3(1)(i) खाला दिल्ले हक्क)

## ग्राम सभेच्यान किरकोळ वन उत्पादनांक पारगमन परवानो(ट्रांझिट परमीट) जारी करूं येता? तशें जाल्यार सद्याच्या पारगमन परवान्याचें कितें जातलें?

हय. जेन्ना किरकोळ वन उत्पादनांचो हक्क वन हक्क कायद्यान मानून घेतला, तेन्ना ग्राम सभेक पारगमन परवान्याचें नियमन करपाचो अधिकार फावता.

वन हक्क नेमावळींतल्या (6/9/2012 दिसाक सुदारिल्ले) नेमां प्रमाण किरकोळ वन उत्पादनांच्या परिवहनना खातीर ग्राम सभेन नेम 4(1) (e) प्रमाण घडयिल्ले समितीन वा ग्राम सभेन अधिकार दिल्ले व्यक्तीन पारगमन परवानो दिवं येता. ह्या नेमा मदीं मुखार अशी तरतूद केल्ली आसा, ती म्हळ्यार हे समितीचे सगले निर्णय जे पारगमन परवान्याशीं संबंधित आसात, ते ग्राम सभे मुखार मान्यताये खातीर दवरप गरजेचें आसा. वन हक्कनेमावळी खाला सध्याचे जे किरकोळ वन उत्पादन परिवहनना खातीरचे नेम आसात ते वन हक्क कायद्यांच्या संदर्भांत आनी किरकोळ वन उत्पादन हक्कादारां खातीर तांची परत मांडावळ करची.

## PESA आनी FRA (वन हक्क कायदो) हांचे खाला किरकोळ वन उत्पादनांच्या (MFP) मालकी हक्का विशीं तरतूद आसा.ह्या दोनय कायद्यांत खंय तरी विसंगती विरोधाभास आसा?

PESA आनी FRA हांतले अधिनियम हे परस्पर संबंधी आसात. तांचो समरसतेन अर्थ लावूक जाय. PESA आनी FRA ह्या दोनय कायद्यांचो अर्थ परस्परांच्या संबंधात परिभाशीत करूंक जाय. वन हक्क कायद्याच्या कलम3(1)(c) प्रमाण किरकोळ वन उत्पादनांचो मालकी हक्क हो वन निवासी सुदायांक दिल्लो आसा. म्हंटगीर थंय कसलोच विरोधाभास वा विसंगती ना.

वयल्या वयर पळयल्यार PESA आनी FRA मदीं विरोधाभास दिसता. खरें म्हळ्यार हो विरोधाभास वा

विसंगती ही थळाव्या राज्याच्या कायद्याक लागून दिसूंक पावता. पूण मूळ अधिनियमांक तें लागू जायना. PESA प्रमाण किरकोळ वन उत्पादनांचो अधिकार ग्राम सभा आनी पंचायतीं कडेन फावो त्या पावंड्यार दिल्लो आसा.(खासा जंय हीं संसाधनां एका परस चड ग्रामसभां मेरेन विस्तारिल्लीं आसात.)पूण कांय राज्यांनी हो हक्क ग्राम सभे कडेन दिवप हाचे कडेन दुर्लक्ष करून तो मालकी हक्क ग्राम पंचायतीं कडेन सोंपयला. हे PESA कायद्याच्या विरोधी/ विसंगत आसा. म्हण तातूंत दुरुस्ती गरजेची आसा. अश्यो विसंगती काडून उडयल्यार वन हक्क कायद्या कडेन(FRA) फावो तशी सुस्पश्ट सुसंगती जावंक पावतली.

PESA हो पांचवे अनुसूचींतल्या वाठारां पुरतो मर्यादीत आसा, म्हण तो किरकोळ वन उत्पादनांचे मालकी हक्क ते अनुसूचीत वाठारांतल्या ग्राम सभांक दिता.खूबशी वन निवासी लोकसंख्या ह्या अनुसूचीत वाठाराच्या भायर सुद्धां रावता. तांकां हाच्या पयलीं असोफायदो जाल्लो नासतलो. पूण आतां वन हक्क कायद्या खाला अनुसूचीत वाठार वा त्या भायलो वाठार सुद्धां वन निवासीचा हक्कां खातीर आसपावला. इतलेंच न्हय तर PESA खाला राज्य प्रशासनाक हक्काच्या लाब धारकांक लिखीत रूपांत मालकी हक्क दिवपाची गरज पडनासली, ती आतां वन हक्क कायद्यान दिवची पडटा.

## PESA खाला किरकोळ वन उत्पादनाचे(MFP) मालकी हक्क ग्राम सभे कडेन दितात, आनी वन हक्कदार कशे वन हक्क कायद्या खाला हक्क मेळयतात?

वन हक्क कायदो एखादे व्यक्तीक वा व्यक्तींच्या पंगडाक वा एखाद्या घराब्या कडेन हक्क दिता जंय ग्राम सभेची पुराय जापसालदारकी आसता. व्यक्तीगत अधिकार दिवपाचो हक्क ग्राम सभेच्या अधिकारांत आसता. म्हणच वन हक्क कायद्या खाला किरकोळ वन उत्पादनांच्या दिल्ल्या हक्काची खाजगी मालमत्ता हक्कां कडेन तुळा जावंक शकना. म्हणच तांचो विलो लावपा मर्दीं येवपी आडमेळे खरें म्हळ्यार ह्या कायद्याचे प्रस्तावनेंत ठासून व्यक्त केल्ल्या वन परिसंस्थेचो टिकावूपणाचे कल्पनेचो एक

वांटो जावन आसा. ही मालमत्ता आनी तिचे मालकी हक्क हांची कल्पनाPESA मदीं पडबिंबीत जाल्ली आसा.

वन हक्क कायद्याच्या कलम 5 आनी नेमावळीचो नेम 4(1) प्रमाण निर्णय आनी येवजण्यो ग्राम सभेच्या पावंड्यार चर्चा, विचार आनी वाटाघाटीचे प्रक्रियेंतल्यान घडपाक जाय. ही प्रक्रिया दीर्घ काळाची थारता अशें दिसूंकफावता. पूण अशे घेतिल्ले वन निवासी समुदायांच्या मालकी हक्का विशींचे निर्णयच तांच्या दीर्घ काळाच्या यशाक बेगोबेग कारणीभूत जावंक पावतले.

## ग्राम सभा आनी नेम 4(1)(e) खाला केल्ली समिती हांचे मदीं निर्णय घेवपाचो अधिकार कोणाक आसता?

किरकोळ वन उत्पादना विशीं निर्णय घेवपाचे अधिकार स्पश्टपणान ग्राम सभेक आसात. नेम 4(1) (e) खाला घडयिल्ली समिती ही ग्राम सभेची प्रतिनिधी वा कार्यकारी शाखा जावन आसा. ते समितीचो वावर/कृती मंजूर करप, तातूंत फेरफार करप वा तो रद्द करप हें ग्राम सभा थारायता. तो ग्राम सभेचो अधिकार आसता.

## किरकोळ वन उत्पादनाची पावणी आनी/वा विलो लावपाचो अधिकार वन हक्कदाराक काय नेम 4(1)(e) खाला घडिल्ले समितीक आसता?

सगल्याच किरकोळ वन उत्पादनांची पावणी करूं येना. किरकोळ वन उत्पादनाचो विलो लावपाचो पुराय वावराचो आवांठ नेम 2(1)(d) स्पश्ट करता. पूण वन हक्क कायद्याच्या कलम 5 खाला ग्राम सभेच्या अधिकारांत आसता.

जंय किरकोळ वन उत्पादनाचो अधिकार व्यक्ती, व्यक्तींचो पंगड वा कुटुंब हांकां आसतात. थंय ह्या उत्पादनांचो विलो लावपाचो पुराय वावर नेम 2(1)(d) खाला येता. पूण वन हक्क कायद्याच्या कलम 5 खाला हे सगले अधिकार ग्राम सभे कडेन आसतात.

जंय हीं किरकोळ वन उत्पादनां एकठांय केल्ली वा कोणे व्यक्ती व समुदायाच्या घराब्यान वापरिल्लीं नात, थंय तांची पुराय मालकी ग्राम सभेक आसता. म्हण अश्या उत्पादनांची पावणी करप वा विलो लावप हाचे पुराय अधिकार ग्राम सभेक आसतात. ग्राम सभा स्वता तशी प्रक्रिया करूंक शकता वा नेम4(1)(e) खाला घडयिल्ले समितीक ती प्रक्रिया करूंक सांगता. पूण ती प्रक्रिया स्वताच करपाचो अधिकार हे समितीक फावना. ते सगले अधिकार आनी निर्णय ग्राम सभेचे मान्यतायेनच करचे पडटात.

वन हक्क कायद्याचें म्हत्वाचे मुळावें तत्त्व म्हळ्यार वन निवासी समुदायांचें जीवनमान आनी शाश्वात अन्न सुरक्षा सुनिश्चित करप. ताका लागून थळाव्या गरजां खातीर किरकोळ वन उत्पादनांचो वेवसायीक तत्वार रूपांतरण करपाक मेळना. ताका आळाबंद येता. आनी जे थळावे कारागीर ही किरकोळ वन उत्पादनां कच्चो माल म्हण वापरतात तांच्या हक्कांची राखण जाता.

## वन हक्कदाराक किरकोळ वन उत्पादनां कोणाकय दिवन विलो लावं येता वा तीं उत्पादनां ग्राम सभेकच विकपाचीं वा ग्राम सभेन थारायिल्ल्या एजंसीक विकपाचें बंधन आसता?

किरकोळ वन उत्पादनां ग्राम सभेकच वा ग्राम सभेन थारायिल्ल्या एजंटाकच विकपाचें कसलेंच बंधन हक्कदाराचेर आसूंक शकना(पळयात-कायद्याचे कलम3(1)(c) आनी नेम2(1)(d).किरकोळ वन उत्पादनांच्या हक्काचो असो अर्थ लावप सामकें चुकीचें थारता. ताका लागून जे वन निवासी उण्या किंमतीच्या वन उत्पादनाचेर अवलंबून रावन आपली जिविका चलयतात तांकां खूब त्रासांत घाल्ल्या सारकें जातलें. खास करून जे लोक ह्या उत्पादनांचें मोल वाडोवपा खातीर संकलन आनी वेगळावपाचें काम धोकोदायी परिस्थितीं सदांच करतात तांकां त्रास भोगचे पडटले.

पयलीं सांगिल्ल्या प्रमाण जंय किरकोळ वन उत्पादनांचो मालक हो एखादी व्यक्ती, व्यक्तींचो पंगड वा घराबो आसा ताणीं उत्पादनांची विक्री करतना वा विलो लायतना संसाधनांचो तिगाव शाश्वत उतरलो ह्या खातीर कायद्याच्या कलम 5 प्रमाण ग्राम सभेचो निर्णय आनी नेम 4(1)(e) खाला घडयिल्ले

समितीचो निर्णय मानून घेवपाचें बंधन आसतलें. पूण असल्या बंधनाक लागून उत्पादनांचो विलो लावपाचो अधिकार उणो करूंक शकना.

त्याच प्रमाण समुदायाच्या अधिवासाच्या कार्यकाळाचे आनी वाठाराचे अधिकार जे PVTG आजवेर वसत्यां खातीर प्रचलीत रितीन भोगत आयल्यात ते सामाजीक, अर्थीक, आध्यात्मिक, सांस्कृतीक आनी हेर उद्देशां खातीर.

## दावेदार हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFD) वा वन निवासी अनुसूचीत जमातीचो (FDST) म्हण किरकोळ वन उत्पादनांचेर वन हक्क कायद्या प्रमाण पात्र नासता तेन्ना एक अश्या पात्र नाशिल्ल्या दावेदारा खातीर आनी दोन-किरकोळ वन उत्पादनाचे (बांबू सयत) अधिकार आशिल्लो दावेदार अशे नेमांचे दोन संच करप शक्य आसा?

किरकोळ वन उत्पादनाच्या मालकी हक्काची संकल्पना ही खाजगी मालमत्तेच्या हक्काच्या समजुतीचे चौकटींत बसना. मालकी हक्क (खाजगी मालमत्तेचो) म्हळ्यार वापरप आनी विलो लावपाचो पुराय अधिकार आसता. पूण वन हक्क कायद्या प्रमाण वन हक्क हे सहकार्य आनी लोकशाही पद्धतीन निर्णय घेवप, त्याच प्रमाण सर्वसमावेशक आनी व्हडले वन परिसंस्थेच्या एकठावीत विचारांचेर आधारिल्ले आसतले हें पळोवंक जाय.

ताका लागून वन हक्क कायद्या खाला (FRA), किरकोळ वन उत्पादनांच्या (MFP) हक्काची खाजगी मालमत्तेच्या हक्का कडेन तुळा करूंक जायना. म्हण तांचेर विल्हेवाट लायतना आयिल्लीं बंधनां हे कायद्याचे प्रस्तावनेंत हेतू सांगतना स्पश्ट केलां. ताचें कारण म्हळ्यार रानांतले जिवावळीची (वन-परिसंस्थेची) राखण आनी तिगावपण हांचो तो मुखेल वांटो आसा. मालमत्ता आनी मालकीची ही कल्पना PESA मर्दी पडबिंबीत जाल्ली आसा.

ह्या संदर्भांत एक गजाल मतींत घेवपाक जाय. ती म्हळ्यार एखाद्या विशिश्ट किरकोळ वन उत्पादनाचो (MFP) वन अधिकार एखादी व्यक्ती, व्यक्तींचो पंगड वा कुटुंबा कडेन आसता. असले पुराय अधिकार आनी जापसालदारकी ग्राम सभेच्या अधिकारांत घुस्पल्ले आसतात.

कांय देखी मुखार दिल्यातः

- एखाद्या झाडाझाडांची फुलां फुलोवप, फळां पिकोवन वा तांच्या पानांचो वापर करप हाचो अधिकार विशिश्ट व्यक्ती वा कुटुंबा कडेन दिवप आसता.

- एखाद्या वाठारांतल्या एका विशिश्ट किरकोळ वन उत्पादनाचें पुंजावप, वेगळावप, ताची वाहतूक करप आनी विक्री करपाचो अधिकार त्या विशिश्ट वाठारांतल्या उपसमूहाक दिवप आसता.

- जंय केवळ किरकोळ वन उत्पादन काडून घेवपाक केल्ल्या वैयक्तीक स्रमांक लागून मोल वाडटा ना जाल्यार अपेशी जावन उत्पन्नाचो दर्जो उणावतलो. (हें चड मोलाच्या आनी उण्या मोलाच्या अश्या दोनय तरांच्या किरकोळ वन उत्पादनांचे बाबतींत खरें आसा.)

- कांय वाठारांत किरकोळ वन उत्पादनां पुंजावपी दरेक मोसमांत बदलतात वा विशिश्ट किरकोळ वन उत्पादना फक्त एका विशिश्ट समुदाया कडल्यान पुंजावप जाता. अश्यो आनीक देखी आसूंक शकतात.

अशे परिस्थितींत वन हक्क कायदो आनी वन हक्क नेमावळ अशें मानून घेता कीं व्यक्ती, व्यक्तींचो पंगड वा कुटुंब हांच्या कश्टांचे आनी मोल वाडोवन तांकांफावो तो मोबदलो मेळपाचे अधिकार ग्राम सभेचे अधिकार, जापसालदारकी आनी हक्क हांचे कडेन सुसंगत आसचे. म्हणच वन हक्क कायद्याचें कलम ५ ग्राम सभेक वन संपत्तीची जतनाय, वेवस्थापन आनी राखण करून तांचो व्यक्ती वा व्यक्तींचो पंगड वा कुटुंब हांचे कडल्यान शाश्वत स्वरूपांतलो वापर करपाची तजवीज ग्राम सभेच्या अधिकारांत दिल्ली आसा. उत्पादनां पुंजावपाचे अधिकार आनी जापसालदारकी जी तांच्या शाश्वत वापरा खातीर घालून दिल्ल्या निकशां प्रमाण आसा तांचे वैयक्तीक अधिकार ग्राम सभेच्या अधिकार आनी जापसालदारकेंत एकठाविल्ले आसात.

नेमावळ कलम 5 आनी नेम 4(1)(e) खाला ग्राम सभेक मेळल्लिया अधिकारा वरवीं नेम तयार करून किरकोळ वन उत्पादनांच्या (MFP) मालकी हक्काचो वापर करपाच्या उद्देशान नेमांचो एकच संच केल्लो आसतलो.

## वन गांवां आनी सर्वेक्षण जाल्लें नाशिल्ल्या गांवांचें रूपांतरण

### पोरण्यो वसत्यो, नोंद नाशिल्लयो वा सर्वेक्षण जाल्ल्यो नाशिल्ल्यो बसणूको आनी जीं महसुलाचो वांटो जावंक वना अशीं वन जमनींत आशिल्लीं पूण वन-मालमत्ता नोंदी मदीं नोंद जाल्लीं नाशिल्लीं गांवां म्हण कशीं परिवर्तीत करप?

वन हक्क कायदो (FRA) खऱ्या अर्थान चालीक लागचो म्हण नेम 2-A जो (6/9/2012दिसा सुदारला) तो वन हक्क नेमावळी खाला येता. त्या प्रमाण जिल्हो प्रशासनान जिल्हो अधिकाऱ्याच्या फुडारपणा खाला आनी पंचायती राज संस्थांच्या सारख्यांच्या जोड पालवान सक्रीय रितीन पावलां मारून सगलीं गांवां आनी महसूली गांवां म्हण नोंद नाशिल्ली अशीं सगलीं गांवां महसूली गांवां म्हण परिवर्तीत करपाक पयलीं थारावचीं.

वन हक्क कायदो चालीक लावपाच्या उद्देशानवन हक्क नेमावळीचो नेम 2-A ही प्रक्रिया कशी आसची हें स्पश्ट करता. वाड्यो वा वसत्यो, ज्यांची नोंद वा सर्वेक्षण जाल्लें ना, नोंदी वा सर्वेक्षण जाल्लें नाशिल्ल्यो वसणूको वा वन गांवां वा तौंग्या गांवां आनी तीं वन हक्क कायद्या खाला हाडपाचीं आसतात. नेम 2-A (c) मुखार स्पश्ट करता कीं, वसत्यो आनी वसणुकांची वळेरी तयार करतगीर 'ह्यो वसत्यो आनी वसणूको हांकां मानून घेवन हक्क प्रदान करपाची प्रक्रिया ही पयलीं सावन मानून घेतिल्ल्या अधिकारांक बादिकार करनासतना चालू जाता.'

वन हक्क कायद्या खाला (FRA) संदर्भ आशिल्लीं गांवां वन गांवां म्हण नोंद जाल्लींच आसपावतात अशें न्हय. तर हेर पोरण्यो वसत्यो, सर्वेक्षण जाल्लें नाशिल्लीं गांवां आनी नोंद जाल्लीं, अधिसूचीत जाल्लीं वा जायनाशिल्लीं अशीं रानांतलीं गांवां हातूंत आसपावतात. म्हण कलम 3(1)(h) खाला ह्या

म्हत्वाच्या वन हक्क्यांच्या मान्यताये खातीर सरकारी नोंदी मदीं आसपाव आसप ही पूर्व-अट आसना.

## जेन्ना एखादी जमीन वन जमीन म्हण वर्गीकरण जाल्ली ना तेन्ना वन गांवां आनी हेर गांवां हांचें परिवर्तन कशें करप?

सर्वोच्च न्यायालयान गोदावर्मन प्रकरणांत 12/12/1997[6] दिल्ल्या इतिहासीक निकालांत स्पश्ट केलां तें अशें-

'वन संवर्धन कायदो-1980च्या कलम 2 खाला' 'वन जमीन' ह्या उतरांत फक्त शब्दकोशांत जो 'जंगल' ह्या उतराचो अर्थ दिला त्या प्रमाण आसपाव जायना, पूण सरकारी नोंदींत जी वन जमीन म्हण नोंद जाल्या ती पुराय जमीन हातूंत आसपावता. मागीर ते जमनीचेर कोणाचोय मालकी हक्क आसूं.'

तेन्ना सावन वन जमीन हें उतर ताचे व्यापक व्याख्येंत समजून घेवचें पडटा. वन जमीन म्हळ्यार फक्त तशी नोंद सरकारांत जाल्ली जमीनच न्हय तर हेर तरांची सगली वन जमीन ज्यातूंत महसुली रानां, खाजगी मालकीचीं रानां, सामुदायीक मालकीची रानां आनी हेर सगल्या तरांची वन जमीन हातूंत आसपावता.

मानादिक सर्वोच्च न्यायालयान घालून दिल्ल्या कायद्या प्रमाण वन हक्क कायदो सुद्धां वन जमनीची विस्तृत व्याख्या मानून घेता. वन हक्क कायद्या खाला दिल्ले अधिकार सगल्या वन जमनींक लागू जातात ही वस्तुस्थिती आशिल्ल्यान जर खंयच्याय रानांत वन जमीन म्हण वर्गीकरण जाल्लें नाशिल्लीं गावां आसात जाल्यार तांचें महसूली गांवां म्हण वन हक्क कायदो परिवर्तन करता.

## वनहक्क कायद्यांतल्यो तरतुदी, वन संवर्धन कायदो 1980 आनी माननीय सर्वोच्च न्यायालयान 13/11/2000[7] ह्या दिसा पारीत केल्लो आदेश हांच्या मदीं काय संघर्श वा विरोध आसा?

13/11/2000 ह्या दिसा माननीय सर्वोच्च न्यायालयान एके जन हित याचिके संबंधान अंतरिम आदेश

दिल्लो तो असो -

'मुखावेलो आदेश ये मेरेन जंगलां/अभयारण्यां/राष्ट्रीय उद्यानां हांचें वंचितीकरण (राखीवतेंतल्यान भायर काडप) जावंक फावना.'

हो आदेश वन (संवर्धन) कायदो 1980च्या संदर्भांत व्हड प्रमाणार जातल्या उल्लंघनाच्या संदर्भांत दिल्लो. ताका लागून खंयचेय वर्गीकृत वनजमनीचें वा जंगल नाशिल्ले जमनीचें वर्गीकरण करतले जाल्यार सर्वोच्च न्यायालयाचे खासा मान्यतायेची गरज आसता.

वन हक्क कायद्याच्या कलम 4(1) प्रमाण वन निवासी अनुसूचीत जमाती (FDSTs) आनी हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFDs) हांकां संबंधित जमनीचे अधिकार हेर खंयचेय आडमेळे मानी नासतना (नॉन-ऑब्स्टंट) मान्यताय दिता. तें कलम ह्या दोन तरांच्या लोकांचे वन हक्क मानून घेता. 'त्या वेळार हेर खंयच्याय कायद्यांत कितेंय आसपाविल्लें आसलें तरीकय' हाचो अर्थ असो - वन हक्क मानून घेवन ते प्रदान केल्यात. मागीर ते हेर खंयच्याय कायद्याच्या विरोधांत आसूं. 13/12/2007 ह्या दिसा सावन वन हक्क कायदो लागू जाला आनी माननीय सर्वोच्च न्यायालयान 13/11/2000 दिसा दिल्ल्या अंतरिम आदेशा प्रमाण हेर कायद्याच्या विरोधांत आसूंक शकता वा ना हाची पर्वा करी नासतना वन हक्क मानून घेवन ते प्रदान करपाच्या वावरांत वन हक्क कायद्याक मार्गदर्शन जातलें.

वन हक्क कायद्याच्या कलम 4(7) हातूंत आशिल्ली तरतूद म्हळ्यार हो कायदो वन (संवर्धन) कायदो 1980 खाला गरजेच्यो अश्यो प्रशासकीय स्वरूपाच्यो ना हरकत दाखलो 'निव्वळ आजची किंमत फारीक करप,' 'विपरीत वनीकरणा खातीर भरपाय जावपाचें वनीकरण करप' असल्या थरयिल्ल्या बंधनकारक तरतुदीं पसून मुक्त करून वन हक्क प्रदान करता.

त्याच प्रमाण वन हक्क कायद्या खाला वन हक्कांक मान्यताय दिवपा खातीर 'वन जमीन म्हण आशिल्ली जमीन राखून दवरिल्ले जमनीच्या शिमां भायर काडप' वा वन जमीन म्हण वर्गीकरण केल्ली जमीन जंगल नाशिल्ली जमीन म्हण परत वर्गीकरण करून घेवपाची गरज ना.

ताका लागून कलम 3(1)(h) खाला वन हक्क दितना वसणुको आनी वन जमनीतल्या गांवांचो त्याच प्रमाण वनां नाशिल्ल्या जमनीचो महसूली गांव म्हण आसपाव केल्यार तें सर्वोच्च न्यायालयाच्या 13/11/2000 च्या आदेशाच्या विरोधांत वा उल्लंघन करप अशें थारना.

## वन (संवर्धन) कायदो 1980 च्या कमल 2 खाला वन जमीन आनी वनां नाशिल्ली जमीन महसूली गांव म्हण परिवर्तन करप गरजेचें आसा व्हय?

वन हक्क कायद्याच्या कलम 4(7) प्रमाण आनी हाचे पयलीं स्पश्ट केल्ले कायदेशीर तरतूदीचे नदरेन वन (संवर्धन) कायदो-1980 च्या कलम 2 खाला जी वन जमीन, पोरण्यो वसणुको, सर्वेक्षण जावंक नाशिल्लीं आनी हेर वन जमनीतलीं गांवां, महसुली गांव म्हण नोंद केल्लीं वा तशी नोंद नाशिल्लीं गांवां महसुली गांवां म्हण परिवर्तन करपाची तरतूद आसा पूण तिची गरज ना.

वन हक्क कायद्यांतल्या तरतुदीं प्रमाण कलम 3(1) हें नोंदी तपासून वन हक्क प्रदान करपाचो निमाणो अधिकार जिल्हो पावंड्यावयले समितीक दिता. तातूंत कलम 3(1)(h) प्रमाण वन जमनींतलीं गांवां आनी हेर गांवां महसुली गांवां म्हण परिवर्तन करपाचो अधिकार सुद्धा समितीक दिल्लो आसा.

## वन जमनींत आशिल्लीं गांवां महसुली गांवां म्हण परिवर्तन केल्यार त्या गांवातले अनुसूचीत जमातीच्या भायर आशिल्ल्या हेर लोकांच्या समुदायांचेर कितें परिणाम जातलो?

वन जमनीतल्या गांवांचे महसुली गांवां म्हण रूपांतरण केल्यार त्या वाठारांतल्या खंयचेय जमातीक वा समुदायांक बाधिकार जायना. मागीर ते अनुसूचीत जमातींतले वन निवासी नासूं वा हेर पारंपारीक वन निवासी म्हण पात्र थरिल्ले नासूं. वन हक्क कायदो हेर खंयच्याय कायद्या खाला नेम वा सरकारी आदेशा वरवीं मेळल्लि हक्क वा मान्य केल्ले विशेश अधिकार रद्द करना. खरें म्हळ्यार वन गांवांचें महसुलीं गांवांत रूपांतरण केल्यार सरकाराक ह्या गांवां मेरेन उदरगतीचीं सुत्रां पावोवप शक्य जातलें आनी ह्या

गांवांतल्या लोकांक सरकाराच्या उदरगती संबंधींच्यो कार्यावळी आनी येवजण्यांचो लाब घेवपाचो हक्क मेळटलो.

वन जमनीतल्या गांवांचे महसुली गांवां म्हण रूपांतर भारत सरकाराच्या आदिवासी कार्य मंत्रालयान 8/11/2013(MOTA No./23011/33/2010-FRA) दिसा जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण जावंक जाय.

## हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFDs) पयली सावन आशिल्ल्या जंगलांतल्या गांवांत 13/12/2005 पयलीं 75 वर्सां सावन रावत आयल्यात अशें त्या हेर पारंपारीक वनांत रावप्यांक (OTFDs) सिद्ध करचें पडटा?

वन हक्क कायद्याचें कलम 4(1)(b) हें कलम 2(0) मतींत घेवन वाचल्यार कळटा कीं, हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFDs) समुदायाच्या वांगड्याक वन हक्काक मान्यताय मेळोवपा खातीर ता. 13/12/2005 पयली तीन पिळग्यां सावन (75 वर्सां) वन जमनींत राबितो केल्लो आसूंक जाय वा तांचे उपजीविकेच्या वास्तव गरजां खातीर ताणी रानाचेर वा वन जमनीचेर अवलंबून आसूंक जाय. अशें स्पश्टीकरण आदिवासी कार्य मंत्रालयान ता. 9/6/2006 दिसा जारी केल्ल्या F.NO.17014/02/2007-PC&V(VOL II) ह्या परिपत्रका वरवीं दिल्लें आसा.

हेर पारंपारीक समुदायांतले व्यक्तीक वन हक्क कायद्या खाला हक्क प्रदान करपा खातीर 13/12/2005 पयलीं 75 वर्सां सावन विशिश्ट अश्या वा सहज वळखूपा सारख्या जाग्यार राबितो करून आसूंक जाय वा ताचे उपजीविकेच्या वास्तव गरजां खातीर तो वनांचेर वा वन जमनीचेर अवलंबून आसूंक जाय हाची गरज ना. ते लोक वन हक्क कायद्या खाला हक्कदार आसात अशें हो कायदो मानून घेता. होच नेम वन जमनीतलीं गांवां आनी हेर जमनीतलीं गांवां महसुली गांवां म्हण रूपांतर करपाक लागू पडटा. खरें म्हळ्यार वन जमनींतलो राबितो करून हेर पारंपारीक वन निवासींनी रावप होच पुरावो जावन आसा तो हेर पारंपारीक वन निवासी म्हण दर्जो दिवपाक पुरो आसा.

## वन हक्क कायद्याच्या कलम 3(1)(h) खाला वन जमनीतलीं आनी हेर जमनीतले गांवांत आशिल्लीं अभयारण्यां आनी राष्ट्रीय उद्यानांचें महसुली गांव म्हण रूपांतर गरजेचें आसा?

वन हक्क कायदो वन निवासी अनुसूचीत जमाती आनी हेर पारंपारीक वन निवसी जे सगल्याच वन जमनीं मदीं राबितो करून आसात मागीर तीं अभयारण्यां वा राष्ट्रीय उद्यानां आसूं तांकां वन हक्क दिता.

म्हण कलम 3(1)(h) प्रमाण अभयारण्यां आनी राष्ट्रीय उद्यानां मदलीं वन गांवां आनी हेर गांवां हांचें महसुली गांवां म्हण रूपांतरण करप गरजेचें थारता.

## वन गांवां आनी हेर गांवां हीं महसुली गांवां म्हण थारावप आनी तांचें रूपांतर करप हें जाल्लें नासतनाय वन निवासी अनुसूचीत जमाती (FDSTs) आनी हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFDs) हांकां वन हक्क मानून घेवपाची प्रक्रिया चालू दवरूं येता?

वन हक्क कायदो आनी तांचे कलम 3(1)(h) हाचे खाला वन जमनींत आनी हेर जमनींत राबितो करून आशिल्ल्या वन निवासी अनुसूचीत जमाती (FDSTs) आनी हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFDs) हांकां वन हक्क मानून घेवपा खातीर तीं गांवां महसुली गांवां म्हण रूपांतरीत जावपाची पूर्व अट लागू ना.

म्हण वन निवासी अनुसूचीत जमाती (FDSTs) हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFDs) हांकां वन हक्क दिवपाचो वावर हातांत घेवप वा चालू दवरप हाच्या खातीर त्या वन जमनीतलीं आनी हेर गांवांचें महसुली गांव म्हण रूपांतर जावपाची वाट पळोवपाची गरज ना.

# मालकी हक्क आनी हक्कांची नोंदणी

## वन हक्क कायद्या खाला दिल्ल्या मालकी हक्काचो दर्जो कितें?

कायद्या प्रमाण वन हक्काची मालकी आनी ताची त्या हक्कदारांच्या मालकी हक्काची ती औपचारीक मान्यताय आसता. ती कायद्या खाला सक्षम अधिकाऱ्यांनी सय केल्ल्या दस्तावेजांच्या रूपांत मान्य केल्ली आसता आनी अधिकार प्रदान केल्ले आसतात. वन हक्क कायद्याच्या कलम 4(4) प्रमाण घोव-बायलेच्या नांवार वा घराब्यांत हांचे मदलो एकलोच कोणय जितो आसल्यार ताच्या/तिच्या नांवार हक्क दितात. ताका कायद्याची बुन्याद आसता आनी ती अ-हस्तांतरणीय, अपरिहार्य पूण वारसा हक्क मानून घेवपी आसता.

त्या खातीर व्यक्तीगत हक्कदाराक जो निमाणो वन अधिकार दिला ताचें हक्काचें सम-सारकें पुराय वर्णन-शिमांची आंखणी, सर्वेक्षणाचो नंबर आनी जमनीचो तपशील त्या दस्तावेजांत स्पष्टपणान दिल्लो आसूंक जाय.

हालींच 10/4/2015 दिसा आदिवासी कार्य मंत्रालयान परिपत्रक क्र. 23011/12/2015-FRA वरवीं परतून एक फावट सांगलां कीं, जेन्ना मालकी हक्काची नोंद अधिकृत जातली, तेन्नाच वन हक्क कायद्याची प्रक्रिया पुराय जातली. सरकाराच्या मालकी हक्क नोंदींत जेन्ना सासणाचो मालकी हक्क नोंद जातलो तेन्नाच तो हक्क खरो थारतलो.

## मालकी हक्काच्यो नोंदी खंय जातल्यो? महसूली नोंदीत त्यो जातल्यो वा वनांच्या नोंदींत जातल्यो?

वन हक्क नेमावळीच्या कलम 12A (जें 6/9/2012 दिसा सुधारलां) प्रमाण वन हक्क कायद्या खाला मानून घेतिल्ल्या वन हक्कांची नोंद ते मानून घेवन तांकां मालकी हक्क अधिकृत पणान दितगीर महसूल आनी वन खात्यानी मेळून वनांचो हक्क दिल्लो तो निमाणो नकाशो तयार करून संबंधित महसूल आनी

वन खात्यान त्या हक्कांची नोंदणी ही निर्धारीत मुदती भितर राज्याच्या कायद्या प्रमाण दिल्ली मुदत वा चडांत चड 3 म्हयने हांचे भितरजावंक जाय. हाचो आदिवासी कार्य मंत्रालयान आपल्या 3/3/2014 च्या क्र. 23011/06/2014-FRA ह्या परिपत्रका वरवीं पुनरुच्चार केला.

जर वन जमीन महसूल खात्याच्याप्रशासकीय नियंत्रणा खाला आसा जाल्यार महसूल खात्यानत्या वन जमीन हक्कांची नोंद दवरूंक जाय आनी जर ती वन खात्याच्या प्रशासकीय नियंत्रणा खाला आसा जाल्यार वन खात्यान तशी नोंद दवरूंक जाय अशें सुचयलां. वैयक्तीक वन हक्क आनी तांचें महसूली गांव म्हण रूपांतर करून ताची नोंद महसूल खात्यान दवरूंक जाय. संबंधित राज्यान आपल्या संबंधित हक्क-नोंदणींत त्या हक्कांची नोंद करप गरजेचें आसा. देखीक उत्तर प्रदेश राज्यान आपल्या राज्यांतल्या मालकी हक्कांची नोंदणी सुधारल्या - (ताका राज्य महसूल कायद्याच्या 6व्या दर्जा खाला हाडल्या.) कारण नोंदींत एक कॉलम वाडोवन वन हक्कांची तातूंत नोंदणी केल्या.

वन हक्क कायद्या खाला दिल्ले जमनीचे हक्क नोंदणी करतना तो हक्कदार खंयचे जाती/जमातीचो आसा हाची स्पश्ट नोंद करप गरजेची. कारण फुडाराक आनी कसलेय प्रक्रिये खातीर ताची गरज पडूं येता.

## सामुदायीक वन संसाधन अधिकार (CFR Rights)

### सामुदायीक वन हक्क/अधिकार हे सामुदायीक वन संसाधन अधिकारां परस कशे वेगळे आसात?

सामुदायीक वन हक्क हे कलम 3(1) मदले अधिकार जे गांवांच्या समुदाया खातीर मान्य करून घेवन दिल्ले आसतात आनी एक समुदाय म्हण ते एकठावीत तरेन वापरतात. हातूत निस्तारी हक्क [कलम 3(1)(b)], किरकोळ वन उत्पादनां (MFP)चो अधिकार [3(1)(c)], नुस्तेंमारी आनी चरोवपाचो अधिकार - [कलम 3(1)(d)], वन गांवांचें महसुली गांव म्हण रूपांतर करपाचो अधिकार [कलम

3(1)(h) ], आनी जैव विविधताय आनी बौद्धीक गिरेस्तकायचे अधिकार [कलम 3(1)(k)], आनी हेर अधिकारांचो आसपाव जाता.

कायद्याच्या कलम 2(a) खाला सामुदायीक वन संसाधन (CRF) हाची व्याख्या दिल्या ती अशी-

'(a) सामुदायीक वन संसाधनां म्हळ्यार गांवांच्या पारंपारीक वा रूढीचे तरेन चालंत अशी सामान्य वन जमीन वा गांवगिऱ्या वाठारांचे गवळा समुदाय चरवा खातीर वापरतात ती जमीन. मागीर ती राखीव जंगलांतली, संरक्षीत वनांतली, अभयारण्यांतली वा राष्ट्रीय उद्यानांतली जमीन आसूंये.'

वन हक्क कायद्याच्या कलम ५ खाला हे तरतुदीक आनीक आधार दिला, तो म्हळ्यार ग्राम सभेक मुखार दिल्ले अधिकार प्रदान केल्यात.

a) रानवटी जिवावळ, रानां आनी जैव विविधताय सांबाळप.

b) शेजारचे पाणलोट, उदकाचे स्त्रोत आनी हेर पर्यावरणीय म्हत्वाचे वाठार फावो त्या प्रमाणांत राखून दवरप.

c) वन जमनींत रावपी अनुसूचीत जमाती आनी हेर पारंपरीक वन निवासी हांच्या राबित्याचे सुवातेक सांस्कृतिक आनी सैमीक दायजाक धोको निर्माण करपी अश्या खंयच्याय रूढी वा करण्या पसून राखण दिवप.

d) सामुदायीक वनांतल्या संसाधनां खातीर रिगाव आनी रानवटी जनावरां, जंगलां आनी जैव विविधताय हांचेर वायट परिणाम करपी खंयचेय घडणूकेक आळाबंद हाडपाचो निर्णय घेतला हाची ग्रामसभेन खात्री करून घेवप.

कलम 3(1) खाला वर्णन केल्ल्या सामुदायीक हक्कां परस सामुदायीक वन संसाधन अधिकार चड व्यापक जावन आसात. ते अधिकार भुगोलीक वाठारभर जंय समुदायाक पारंपारीक आनी पूर्वापार रितीन रिगाव आसा आनी ग्राम सभेन तांकां त्या वाठारांतली रानवटी जिवावळ, उदकाचे स्रोत, जंगलां

आनी तांतली जैव विविधताय हांकां कसलीच लुकसाणी जावं नये म्हण खात्री करून घेवपाचे अधिकार दिल्ले आसतात.

## जंय सामुदायीक वन संसाधनांच्या हक्काचो दावो करपाचो आसा थंय तो कोणे करपाचो? आनी कोणाच्या नांवान/नी सामुदायीक हक्क दितले?

वन हक्क नेमावळीचो नेम 11(1)(a) आनी 4 त्याचबराबर फॉर्म सी (6/9/2012 दिसा सुधारिल्ल्या प्रमाण) ग्राम सभा सामुदायीक वन संसाधनांचो अधिकारा खाला दावो सांगप, वन संसाधनांचे निर्धारण आनी तपासणी करपाचो अधिकार ग्राम सभा थारायता.

फॉर्म सी मदीं स्पश्ट केल्ल्या प्रमाण जेन्ना ग्राम सभेच्या वांगड्यांची वळेरी जोडची पडटा, तेन्ना तांतल्या अनुसूचीत जाती (ST)/हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFD) हांची सविस्तर वळेरी तांच्या सये सयत लावंक जाय. पूण ती जोडटना ग्राम सभेच्या सगल्याच वांगड्याच्यो सयो जायच अशें ना. जर ग्राम सभेच्या पुराय वांगड्याच्यो सयो जायच अशें थारायल्यार ही प्रक्रिया चडश्या गांवांनी परिणामकारक रितीन पुराय करप अशक्य जातलें. हातूंत सामकें गरजेचें म्हळ्यार सामुदायीक वन संसाधना खातीर ग्राम सभेन ठराव घेवन दाव्याक फाटबळ दिवप.

सामुदायीक वन संसाधनांच्या अधिकारां खाला खत क्रमांकाचे जोडणे प्रमाण स्पश्ट जाता तें म्हळ्यार ज्या दाव्याची नोंदणी जाल्ली आसता ताचो मालकी हक्क ग्राम सभेच्या नांवान दितात.

## सामुदायीक वन संसाधन अधिकारां खातीर कसले दस्तावेजांचे पुरावे दिवचे पडटात?

सामुदायीक वन संसाधनांचो अधिकार हो usufruct आसता. म्हळ्यार त्या समुदायीक मालमत्तेची उण्यांत उणी लुकसाणी वा इबाड करून भोगपाक मेळल्लिो मालमत्तेच्या फायद्याचो उपेग करपाचो हक्क. तो ह्या कायद्या खाला समुदायाक मेळटा. जंगलां विशींचे खूबशे दस्तावेज आसतात. आराखडे,

राजत्रीत पुरावे, जंगलांतल्या वसणुकांचे अहवाल आनी हेर दस्तावेज जंगलांच्या हक्कांनी भरिल्ल्या अश्या त्या वसणुकांतल्या लोकां कडल्यान तांचे उपभोग घेतात. वन निवासी वनांचो जो उपेग करतात तोच पुरावो पुरो. तोच खरो दस्तावेज त्याच बराबर जंगल वेवस्थापन सहभाग, पारंपारीक रितीन उपेग, सामुदायीक राखण, आनी हेर हे सुद्धां मानून घेसारके पुरावे जावन आसात.

वन हक्क नेमावळीचो नेम 13 (जो 6/9/2012 दिसा सुधारला) त्या प्रमाण जी व्हडली अशी तरेकवार गटांची वळेरी आसा, तातूंत भौतीक आनी मौखीक पुरावो मान्य करपाची तरतूद आसा. खरें म्हळ्यार नेम 13(2) खालाकांय पुराव्यांच्या तरांची चडावत वळेरी दिल्या. ताचेर आधारून सामुदायीक वन संसाधनांचो अधिकार (CFR) मानून घेव येता. तातूंत सध्याचें राखीव जंगल हें पयलींच्या वर्गीकरणा प्रमाण संरक्षीत जंगल, वा 'गोचर' वा हेर भौशीक जमीन,'निस्तारी' जंगलां, त्याच प्रमाण पयलींची वा आतांचे पारंपारीक पद्धती प्रमाण चलतल्या शेतकामांतल्यान तें थारावं येता. नेम 12A(11) अशें स्पश्ट करता-जिल्हो पावंड्या वयले उप समितीच्यान वा जिल्हो पावंड्या वयले समितीच्यान समुदायाचो दावो मानून घेवपा खातीर एखाद्या विशिश्ट पुराव्याची सक्ती/हट्ट धरूं येना. ही कायद्याची स्थिती गुजरात हाय कोर्टान निकत्याच दिल्ल्या निकालांत मान्य केल्या.[8]

भारत सरकाराच्या आदिवासी कार्य मंत्रालयान 6/9/2012 दिसा सुधारिल्ल्या वन हक्क कायद्या संबंधीच्या 28/4/2015च्या परिपत्रकांतल्या स्पश्टीकरण दिलां. त्या प्रमाण राज्य सरकारांनी भुगोलीक संदर्भांतले नकाशे तयार करून तांचो डेटाबेज तयार दवरचो आनी सामुदायीक वन संसाधन अधिकारा खाला दावे मांडपी वन निवासी लोकांक ते मेळपा सारकी वेवस्था करची. ताका लागून खरे/वास्तवीक दावेदार ह्या हक्कां पसून भायर उरचे नात. त्याच प्रमाण 27/7/2015 च्या परिपत्रक क्र. 23011/18/2015-FRA वरवीं सामुदायीक वन संसाधन अधिकारा खाला आनीक सविस्तर सुचोवण्या वरवीं जी एस आय तंत्रगिन्यानाचो उपेग करचो अशें सुचयलां.

**इतलेंच न्हय तर PESA च्या वाठारांतल्या ज्या अनुसूचीत जमातींत नाशिल्ले लोक परंपरेन असलीं सामुदायीक संसाधनांचो वापर करतात पूण ते वन हक्क कायद्या खाला, वन हक्क सांगपाक घडये पात्र थरनात. सामुदायीक संसाधनांचे बाबतींत तांच्या अधिकारांचें कितें?**

जंय PESA लागू आसा थंयच्या अनुसूचीत जमातींच्या भायल्या वा हेर पारंपरीक वन निवासी जे वन हक्क कायद्या खाला अपात्र थरतात तांकां PESA च्या पांचवे अनुसूची प्रमाण कसलोच बाधिकार जावंक पावना.

वन हक्क कायद्याचें कलम 13 सामकें स्पश्ट करता तें अशें.

'ह्या कायद्यांत आनी पंचायतींच्या तरतुदींत (अनुसूचीत क्षेत्राच्या विस्तारा खातीर) अधिनियम 1996 ह्या कायद्याच्या तरतुदीं बगर चडावत आसतल्यो आनी सध्या अंमलांत आशिल्ल्या खंयच्याय कायद्यांतल्या तरतुदींच्या आड नासतल्यो वा भंग करपी वा कमी करपी नासतल्यो हें मनांत पक्कें दवरचें.'

हाचो अर्थ असो कीं, वन हक्क कायदो PESA कायद्या खाला जंय अनुसूचीत जमातीच्या भायल्या वा हेर पारंपारीक वन निवासी नाशिल्ल्या समुदायांक पांचवे अनुसूची प्रमाण जे वन हक्क दिल्यात ते चालूच आसतले.

म्हण ज्या लोकांचो वन संसाधना विशींचो अधिकार वन हक्क कायद्या खाला मेळप वा मान्य करप शक्य ना, अश्या परंपरेन रावपी अनुसूचीत जमाती भायल्या लोकांक PESA चे पांचवे अनुसूची खाला मेळल्ल्या अधिकारांचेर कसलोच परिणाम जावचो ना.

पूण हे समुदायाचे हक्क/अधिकार पयलीं कायदेशीर आसात कांय ना हाचेर तें अवलंबून आसतलें. ताणी हेर खंयचोय संरक्षणात्मक कायदो जसो आदिवासी जमनीचें परकी करण आडावपाचो कायदो

मोडूंक ना मू हें पळोवचें पडटलें.

## सामुदायीक वन संसाधनांचें संवर्धन आनी वेवस्थापनाचो आराखडो कोण तयार करतलो?

वन हक्क नेमावळी (जी 6/9/2012 दिसा सुधारल्या)च्या नेम 4(1)(e) प्रमाण ग्राम सभेन कायद्याच्या कलम 5 खाला आशिल्ल्यो तरतुदी पुराय करपा खातीर वन संसाधनांचें संवर्धन आनी वेवस्थापन आराखडो तयार करपाची समिती घडोवंक जाय/घडयता. ही समिती वन निवासी अनुसूचीत जमाती आनी हेर पारंपारीक वन निवासी हांकां सामुदायीक वन संसाधनांचे अधिकार शाश्वत आनी न्याय्य पद्धतीन मेळत रावपा खातीर वन संसाधनांचें संवर्धन आनी वेवस्थापन आराखडो तयार करता. अश्या संवर्धन आनी वेवस्थापन येवजण्यांत वन विभागान तांच्या सुक्षीम (मायक्रो) येवजण्यो, कार्य येवजण्यो वा वेवस्थापन येवजण्यांत समितीन फावो तशे बदल करून आसपावन घेवंक जाय.

ह्या आराखड्याचेर आनी समितीच्या वावराचेर देखरेख आनी नियंत्रण ग्राम सभा दवरता. संवर्धन आनी वेवस्थापन आराखड्यांत ग्राम सभा बदल करूंक शकता. त्याच प्रमाण सामुदायीक वन संसाधनांच्या संवर्धन आनी वेवस्थापनां खातीर जर गरज पडली जाल्यार निर्बंधय घालूंक शकता. भारत सरकाराच्या आदिवासी कार्य मंत्रालयान 23/4/2015 ह्या दिसाच्या क्र.F.NO.23011/16/2015-FRA परिपत्रका वरवीं स्पश्ट केल्ल्या प्रमाण ग्राम सभेक सामुदायीक वन संसाधनांचें संवर्धन आनी वेवस्थापन करपा खातीर स्वताच सोपें स्वरूप विकसीत करपाची मेकळीक आसता. असली येवजण सगल्या वांगड्यांक सहजपणान समजतली अशी आसची. तातूंत जंगलांत रिगाव, उपेग आनी संवर्धन हाच्या संबंधान नेम तयार केल्ले आसचे.

नेमवळींतलो नेम 4(1)(e) प्रमाण नेमिल्ले समितीचे अधिकार हेर खंयच्याय कायद्या खाला नेमिल्ले समितीच्यान वा ग्रामसभेच्यान काडून घेवपाक जायनात वा खंयचोय ठराव करून आपले जापसालदारकींतल्यान मेकळी जावंक शकना.

## वन हक्क कायद्या खाला ज्यांचे वन हक्क मानून घेतल्यात त्या जमनीतल्या रूखांचो मालकी हक्क जमीन हक्कदारांक मेळटा व्हय?

हय. वन हक्क कायद्याच्या कलम 3(1)(a) प्रमाण ज्यांचे वन हक्क मानून घेतल्यात त्या वन जमनीतल्या रूखांची मालकी हक्कदारांक मेळटा.

वन हक्क कायद्याच्या कलम 3(1)(a) खाला वन निवासी अनुसूचीत जमाती(FDSTs) आनी हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFDs) हांकां तांचो मालकी हक्क दिल्ले वन जमनींत राबितो करपाचो आनी स्वताचे उपजीविके खातीर स्वता ते जमनींत शेती करपाचो हक्क दिता. म्हंटगीर मालकी हक्क मेळल्ल्यांचे वन जमनींत आशिल्लया रूखांचेर तांचो हक्क थरता. पूण राज्याच्या संबंधित कायद्या प्रमाण रूख मारप आनी तांचो विलो लावप हें काम खाजगी जमनीचेर आशिल्ल्या रूखांक लागता तीच प्रक्रिया हे वन जमनी वयल्या रूखांक लागू जातली. त्या प्रमाण असले रूख मारून विलो लायतना संबंधित कायद्यांत सांगल्लया प्रमाण अटी आनी तरतुदी, सक्षम अधिकाऱ्याची मान्यताय असल्यो गजाली पुराय करच्यो पडटल्यो.

असल्या रूखां पसून मेळपी किरकोळ वन उत्पादना पुंजावन वापरपाचेर कसलेंच बंधन आसचें ना. ज्या जाग्यार 'निस्तार' आनी हेर पारंपारीक/चालंत आशिल्ले अधिकार दिल्ले आसात वा चालू आसात ज्यातूंत इमारतीच्या लांकडांचो अधिकार दिल्लो आसा ती वेगळी बाब आसा. ती तशीच चालू दवरपाक वन हक्क कायदो बाधिकार थरना.

# वन वेवस्थापन जोड समित्यांची (JFM) स्थिती

## कांय राज्यां मदीं फाटल्या 15-20 वर्सां सावन अस्तित्वांत आशिल्ल्यो वन वेवस्थापन जोड समित्यांचें (JFM) वन हक्क नेमावळीच्या नेम 4(1)(e) प्रमाण समिती मदीं रूपांतर करपाक वन हक्क कायदो मान्यताय दिता?

पयलीं हें समजून घेवपाक जाय, तें म्हळ्यार वन वेवस्थापन जोड समित्यो ह्यो वैधानीक समित्यो न्हय. भारत सरकाराच्या जून 1990 मदीं घेतिल्या ठरावा[9] प्रमाण त्यो चडश्या राब्यांत घडयल्यात. चडश्या राज्यांनी ह्यो वन वेवस्थापन जोड समित्यो येवजणे खाला वावुरतात. त्यो घडोवपाचो उद्देश वनांच्या वेवस्थापनांत लोकांक आसपावन घेवपाचो आसा.

दुसरे वटेन जंय वन हक्क कायद्या खाला सामुदायीक वन संसाधनांचो हक्क प्रदान करपाचो आसा तो ह्या कायद्या खाला दिल्लो विशिश्ट वैधानीक अधिकार जावन आसा.

नेमावळीच्या नेम 4(1)(e) प्रमाण ते वन वेवस्थापन जोड समितीच्या (JFM) वांगड्यांक नेमपाचो वा नव्या वांगड्यांक घेवन नवी समिती नेमप हो ग्राम सभेचो विशेश अधिकार जावन आसा.

मुखार अशेंय स्पश्ट केलां त्या प्रमाण नेम 4(1)(e) खाला फक्त ग्राम सभेचे वांगडीच ते समितीचे वांगडी जावपाक पात्र थरतात. चडश्यो वन वेवस्थापन जोड समित्यो (JFM) ह्यो पंचायत पावंड्यार नेमिल्ल्यो आशिल्लयान नेम 4(1)(e) खाला एक तंत्रीक अडचण रूपांतर करपा मदीं आसूंक शकता. ती म्हळ्यार ते समितीचे वांगडी खूबश्या ग्राम सभांचे वांगडी आसपाची शक्यताय आसा. इतलें न्हय तर चडश्या वन वेवस्थापन जोड समितीचो पद सिद्ध वांगडी सचिव हो वन संरक्षक (फॉरेस्ट गार्ड) आसता. अर्थांतच नेम 4(1)(e) खाला तो ते समितीचो वांगडी जावंक शकना. हाका अपवाद म्हळ्यार तो वनसंरक्षक जे ग्राम सभेचो वांगडी आसा त्याच गांवांत तो समितीचेर आसूंक शकता अशें वन हक्क कायदो सांगता.

म्हत्वाचें म्हळ्यार वन वेवस्थापन जोड समिती (JFM) कडल्यान आनी सामुदायीक वन संसाधना

संबंधीच्या जमनींचो वाठार एक सारके (को-टर्मिनस) नात. सामुदायीक वन संसाधन अधिकार हे पारंपारीक शिमो आनी चालंत तरेन मानून घेतिल्ल्या वाठारा खातीर आसता आनी वन वेवस्थापन जोड समित्यो वन विभागान प्राधान्यक्रमान तयार केल्लया कार्य-आराखड्या (वर्किंग प्लॅन) प्रमाण थरयिल्ल्या वाठारा खातीर आसतात.

नेम 4(1)(e) खाला वन वेवस्थापन जोड समित्यांचें (JFM) आपोआप रूपांतर वन हक्क कायद्या प्रमाण अनिवार्य वा योग्य न्हय. कारण वन वेवस्थापन जोड समितीचो उद्देश आनी रचणूक ही नेम 4(1)(e) परस वेगळी आसा. वन हक्क कायद्या प्रमाण जे समुदायाचे हक्क प्रदान करतात तांची बरोबरी वन वेवस्थापन जोड समिती कडेन करपाक कायदो स्पश्टपणान न्हयकारता वा मानून घेना (पळयात D.O.No.MTA&PR/VIP/18/88/2013 ता. 4/4/2013)

## वन वेवस्थापन जोड समित्यांचो (JFM) वाठार सामुदायीक वन संसाधन हक्क म्हण थेट रूपांतर करूं येत?

वन हक्क कायदो (FRA) आनी वन हक्क नेमावळ (F R Rules) हांतल्या तरतुदीं प्रमाण वन वेवस्थापन जोड समितीचें (JFM) सामुदायीक वन संसाधन अधिकाराच्या वाठारांत आपोआप रूपांतर करप अनिवार्य ना आनी योग्य ना. कारण वन वेवस्थापन जोड समितीचीं अद्दिशटां आनी रचणूक आनी तिचो आदेश वन हक्क कायद्या प्रमाण दिल्ल्या सामुदायीक वन संसाधन अधिकारां परस वेगळे आसात.

कांय राज्यांत जैव विविधता कायदो 2002 (Biological Diversity Act 2002) खाला आशिल्ल्या समित्यांक सामुदायीक वन संसाधन अधिकार (CFR) वाठारांचें वेवस्थापन आनी नियंत्रण करपाचे अधिकार दितात. हें वन हक्क कायद्या खाला (FRA) मान्य ना, आनी जैव विविधता कायदो 2002 खाला नेमिल्ल्यो समिती वन हक्क नेमावळीच्या नेम 4(1)(e) प्रमाण आशिल्ली समिती आपोआप पात्र थरूंक शकनात. तांकां सामुदायीक वन संसाधन अधिकारा संबंधान वन हक्क कायदो आनी वन हक्क

नेमावळी प्रमाण ग्राम सभेन समिती घडोवपा खातीर वयर सांगिल्ल्या प्रमाण फावो ती प्रक्रिया करप गरजेचें आसता.

## विकास आनी वन हक्क कायदो (FRA)

### वन हक्क कायद्या खाला हक्कांक मान्यताय मेळटगीर हक्कदाराक वन जमीन आनी सामुदायीक वन संसाधनांचो विकास करपा खातीर कसलोय आधार मेळूंक शकता?

वन हक्क नेमावळ (6/9/2012 दिसा सुधारिल्ल्या प्रमाण) वन हक्कदारांक दावो केल्या उपरांत आधार मेळपाची तरतूद वन हक्क कायद्या खाला केल्ली आसा. राज्य सरकारान वन निवासी समुदाय ज्यांचे वन हक्क कायद्या खाला अधिकार मानून घेवन प्रदान केल्ले आसात तांकां सरकाराच्यो जमीन सुधारणा, जमनीची उत्पादकता, मुळाव्यो सुविधा आनी हेर उपजीविकेच्या उपायां सयत सगल्यो येवजण्यांचो लाब मेळटलो हाची खात्री करून घेवंक जाय. (पळयात नेम-16). खासा वन हक्क नेमावळीचे गरजे प्रमाण संबंधित राज्यांच्या जनजाती आनी समाज कल्याण, पर्यावरण आनी वनां, महसूल, ग्रामीण विकास, पंचायत राज असलीं आनी हेर खात्यांची ती जापसालदारकी आसतली.

म्हत्वाची गजाल मर्तीत घेवपाची ती वन निवासी समुदायांक हक्क दिवपाची प्रक्रिया चालू आसतना वा ताच्या पयलीं सुद्धां वन हक्क कायदो कलम 3(2) खाला त्या समुदायांच्यान आपले वन हक्क चालीक लांव येतात.

### सामुदायीक वन संसाधनांच्या वाठाराच्यो शिमो थारावपाक आनी सहजतायेन वन हक्क कायदो चालीक लावपाक राज्यांक वेगळी अर्थीक पुरवण जावंक शकता?

भारतीय राज्य घटनेचें कलम 275(1) प्रमाण दरेक राज्य सरकाराक वन हक्क कायद्या खाला हो कायदो

चालीक लावपा खातीर निधी मागपाचो अधिकार आसा. ज्या जमनीचे हक्क मानून घेतिल्ले आसात ते जमनीच्या विकासा खातीर आदिवासी येवजणे (TSP) खाला खास केंद्रीय सहाय्य (SCA) मेळूंक शकता.

## कलम 3(2) प्रमाण वन जमनींत विकासाच्यो सुविधा रूपांतरीत करपा खातीर वन खात्याची वन (संवर्धन) कायदो 1980 खाला परवानगी गरजेची आसता?

ना. वन (संवर्धन) कायदो 1980 खाला कसलेय परवानगीची गरज ना. कारण वन हक्क कायदो (FRA) 1980 च्या कायद्यांतल्या कलम 4(7) हांतल्या प्रक्रियांचें वजें आणि तरतुदीं पसून वन हक्क कायदो मुक्तताय मेळोवन दिता.

पूण अश्या विकासाच्या सुविधांक वन हक्क कायद्याच्या कलम 3(2) खाला मुखार दिल्ल्यो अटी पुराय करच्यो पडटल्यो.

- सुविधांचे वेवस्थापन सरकारी संस्था करतली.
- एक हेक्टर परस उणी वन जमीन विकसीत करपाचो वावर आसूंक जाय.
- पंच्यात्तर रूखां परस चड रूख मारप ना.
- ग्राम सभेच्यो शिफारसी आनी
- वन हक्क कायद्याच्या (FRA) कलम 3(2) प्रमाण दिल्ले वळेरीतल्या तेरा गजलीं पुरतें मर्यादित आसप.

## वन जमनीच्या विकासा पयलीं वन (संवर्धन) कायदो 1980 वा वनब जमनींत चलतल्या विकासा विशींच्या वावरा खातीर वन हक्क कायद्या प्रमाण उणेंच त्यो खंयच्यो तरतुदी पुराय केल्ल्याचें दाखोवचें पडटा?

वन हक्क कायद्यांतल्यो उण्यांत उणें अश्यो पुराय करपाच्यो गरजोः-

- संबंधित ग्राम सभेन अशें प्रमाणीत करचें आसा -जो वाठार विकसीत करपाचो आसा त्या वाठारांतले हक्क वन हक्क कायद्या प्रमाण पुराय करून मानून घेतल्यात.
- ग्राम सभेन वन जमनीचो बिगर वन जमीन म्हण विकास करपा खातीरचे मान्यतायेचो ठराव करप. ही ग्राम सभेची बसका त्या विशयाचेर विचार करपा खातीर आपयिल्ली आसची आनी ते बसकेक 50% कोरम आसूंक जाय.

## वन हक्क कायद्याच्या खंयचे तरतुदी प्रमाण वन (संवर्धन) कायदो 1980 खाला वन जमीन वळोवचे पयलीं ग्राम सभेचो निर्णय घेवप गरजेचें आसा?

वन हक्क कायद्याची प्रस्तावना वन निवासी अनुसूचीत जमाती (FDSTs) आनी हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFDs) मदीं जंगलाच्या शाश्वत वापरा खातीर, जैव विविधतायेचें संवर्धन आनी पर्यावरणीय समतोल राखपाची जापसालदारकी आनी अधिकार दिवपाच्या वैधानीक हेतू कडेन लक्ष ओडटा. अश्या वन निवासी समुदायांचे वन हक्क मान्य केल्ले नाशिल्ल्यान तांचेर इतिहासीक अन्याय जाला हें मानून घेता. (तो अन्याय वन हक्क कायदो दुरुस्त करूंक सोदता). कारण असले वन निवासी हे वन परिसंस्थेचें अस्तित्व तिगोवन दवरपी वेगळावंक जायनात अशे घटक आसतात.

कलम 5 वन हक्कदारांक ग्राम सभा आनी गांव पावंड्या वयल्या संस्थांक, जंगलां, पाणलोट वाठार, जैव विविधताय, रावनटी जिवावळ आनी खासा वन निवासींच्या 'सांस्कृतीक' आनी सैमीक वारशाची राखण करपाचो अधिकार दिता. ज्या वावराक लागून जंगलां, रानवटी जिवावळ आनी जैव विविधतायेचे अनिश्ट परिणाम जातात तसल्या वावराचें नियमन करप आनी तो वावर थांबोवपाचो

अधिकार कलम 5(d) ग्राम सभेक दिता. वन निवासी आशिल्ले दरेक ग्राम सभेक हे अधिकार अंतर्भूत आसतात.

त्या भायर कलम 3(1)(i) खाला वन हक्कांचे व्याख्येंत जे वन निवासी वन संसाधनाची परंपरेन राखण आनी तिगावक्षम वापरा खातीर राखून दवरतात त्या खंयच्याय सामुदायीक वन संसाधनांची राखण, पुननिर्माणाक राखण आनी वेवस्थापन करपाचो अधिकार आसपाविल्लो आसता. नेम 12-B(3) प्रमाण जिल्हो पावंड्या वयले समितीचें कर्तव्य सांगता. तें म्हळ्यार तिच्या भुगोलीक अधिकार वाठारांतल्या सगल्या निवासी आशिल्ल्या गांवांचे कलम 3(1)(i) खाला वन हक्क मानून घेतल्यात हाची खात्री करून घेवप.

ह्यो पुराय तरतुदी मतींत घेवन सर्वोच्च न्यायालयान ओडिशा मायनिंग कॉर्पोरेशन प्रकरणांत[10] वन जमीन बिगर वन जमनीत खंयच्याय विकास प्रकल्पा खातीर वळोवच्या पयलीं बाधीत ग्राम सभांचो निर्णय गरजेचो आसता अशें म्हळां. तशी वन जमीन वळोवचे पयलीं ग्राम सभेचो निर्णय घेतिल्लो नासल्यार वन हक्क कायद्याच्या कलम 5 वरवीं तें वळोवप रद्द थरतलें.

वन हक्क कायदो वाचतगीर एक वस्तुस्थिती स्पश्ट जाता. ती म्हळ्यार कलम 3(2)खाला खंयचीय वन जमनीन हेर वावरा खातीर वळोवच्या पयलीं बाधीत ग्राम सभेची शिफारस गरजेची आसता. तातूंत विकासा संबंधीच्या 13 तरांच्या ववराचो उल्लेख केल्लो आसा आनी तो वावर एक हेक्टर वन जमीन परस चड आसूंक उपकारना. त्याच प्रमाण 75 रुखां परस चड रूख मारूंक मेळचे नात. एक हेक्टर इतली ल्हान वन जमीन वळोवपा खातीर ग्राम सभेचे शिफारसीची गरज आसता आनी जंय व्हडल्या प्रकल्पाक लागून पर्यावरणाची व्हडा प्रमाणार लुकसाणी जावपाची चड शक्यताय आसा थंय तशी शिफारस गरजेची ना म्हणप म्हळ्यार मूर्खपणाचें थरतलें.

## विशिश्ट तरेच्या प्रकल्पां खातीर वन हक्क कायद्या खाला वन हक्क मानून घेवपाचे प्रक्रियेंतल्यान सूट/मोकळीक दीवप शक्य आसा?

ना. वन जमीन वळोवच्या पयलीं वन हक्क कायद्याक (FRA) पाळो दिवप गरजेचें थारता. हो कायदो खंयच्याय तरांच्या प्रकल्पांक सूट/मेकळीक दिना. वन जमनीची विस्तृत व्याख्या वन हक्क कायद्याच्या कलम 2(d) मदीं सर्वोच्च न्यायालयान 'गोदावर्मन प्रकरणांत' दिल्ल्या निकाला[11] प्रमाण केल्ली आसा.

वन हक्क कायद्यांतल्या तरतुदींचो कायदेशीर हेतू मतींत घेवन लोकशाही सरकारांत ग्राम सभेच्या प्राधान्याचो कांटोकोरपणान अर्थ लावप गरजेचें आसा.

वन हक्क कायद्यानच (FRA) ग्राम सभेची खंयच्याय विकासा विशींच्या कार्यावळींतली मध्यवर्ती भूमिका मानून घेतल्या अशें न्हय. खूबश्या राज्यांच्या अनुसूचीत वाठारांक लागू आशिल्ल्या पंचायत राज कायद्यांत आसपावन घेतिल्ल्या PESA मदींय ताचो उल्लेख केल्लो आसा. सर्वोच्च न्यायालयान ओडिशा मायनिंग कॉर्पोरेशन प्रकरणांत[12] दिल्ल्या निकालांत ग्राम सभेचे मध्यवर्ती भूमिकेचे समर्थन/पुश्टी केल्या तातूंत सर्वोच्च न्यायलयान ग्राम सभेची (ओडिशांतली 'पल्ली सभा') भूमिका मध्यवर्ती थारायल्या. ही भूमिका सामुदायीक वन जमीन वा व्यक्तीगत वन हक्काचो दावो आनी त्या वन वाठारांतल्या विकासा संबंधीचो निर्णय घेवपा मदीं आसता.

## वन हक्क कायद्या प्रमाण वन जमीन हेर वापरा खातीर वळयतना वन हक्क कायद्याची मान्यताय वा ना हरकत दाखल्याची (NOC) गरज आसता?

विकास प्रकल्पांक वेगवेगळ्या कायद्यां खाला तरातरांची वैधानीक मान्यताय/मंजुरी घेवप गरजेचें आसता. तातूंत वन (संवर्धन) कायदो-1980 खाला वन मान्यताय (फॉरेस्ट क्लिअरंस) पर्यावरण (संरक्षण) कायदो - 1985 खाला पर्यावरण मंजुरी आनी त्या कायद्यांतले तरेकवार नेम आनी मार्गदर्शक सुचोवण्यो आनी हेर मान्यतायो हांचो आसपाव आसता. हे कायदे वैधानिक स्वरूपाचे आसतात.

पूण वन हक्क कायदो (FRA) मुळाव्या अधिकारांक मान्यताय दिवन ते हक्क प्रदान करता. ताका लागून सामके वेगळे बुन्यादीचेर ह्या कायद्याची उबारणी केल्या. हेर खंयच्याय मानून घेतिल्ल्या मूलभूत अधिकारां प्रमाण वन हक्क कायद्याखाला हक्कदाराक मेळल्लि हक्क फावो ती प्रक्रिया केल्या बगर आपणाक लुकसाणी जाल्या म्हण हेरांच्या नांवान बदलूक येनात. हें कलम 4(5) वरवीं दुपेटीन स्पश्ट केलां. त्या प्रमाण वन निवासी अनुसूचीत जमाती वा हेर पारंपारीक वन निवासी हांची नांवां काडून उडोवच्या पयलीं तांची पडताळणी आनी मान्यताय प्रक्रिया पुराय करपाची गरज आसता.

ग्राम सभेक तांचीं जंगलां आनी सामुदायीक वन संसाधनांची राखण, जतनाय, संवर्धन आनी वेवस्थापन करपाचे अधिकार आनी जापसालदारकी आसता. म्हणच आपणाल्या वाठारांतली वन जमीन हेर खंयच्याय विकासा खातीर वळोवच्या पयलीं ग्राम सभेत खास आपयिल्ले बसकेंत ताचो विचार करचो आनी सगल्या बाबींचो बारीकसाणीन विचार करून हक्क मानून घेवपाची प्रक्रिया प्रमाणीत केल्या उपरांत प्रस्तावीत जमीन वळोवपा विशीं निर्णय घेवचो. भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयाच्या ओडिशा मायनिंग कॉर्पोरेशन प्रकरणांत[13] तीन न्यायाधिशांच्या खंडपीठान दिल्ल्या निकाला उपरांत हो हे भूंयेचो कायदो जाल्लो आसा.

ही प्रक्रिया प्रशासकीय वा नियमन करपी अधिकारिणी वरवीं वन मंजुरी वा ना हरकत दाखलो (एनओसी) दिवपा कडेन तुळा करूंक जायना. ताच्या बदला हे प्रक्रिये खातीर ग्राम सभेन विचार करून आनी पुराय म्हायती सयत दरेक गजालीचेर विचार करून प्रक्रियेचो वापर करूंक जाय.

## विकास प्रकल्प चालीक लावप गरजेचें आसा हें प्रमाणीत करपी सक्षम अधिकारीणी कोण जावन आसा?

वन हक्क कायद्याच्या कलम 6 खाला ग्राम सभा ही सक्षम अधिकारिणी जावन आसा. तिणेच दाव्यांचें निर्धारण आनी पडताळणीची प्रक्रिया सुरू करची पडटा. कलम 3(1)(i) खाला वन हक्क मानून घेवपी आनी ते प्रदान करपी, त्याच प्रमाण सामुदायीक वन संसाधनांची राखण, वेवस्थापन आनी संवर्धन

करपी अधिकारिणी म्हण कलम 5 खाला ग्राम सभेक अधिकार फावतात. त्याच कलमा खाला आनी वन हक्क कायदो आनी वन हक्क नेमावळींत ग्राम सभेच्यो जापसालदारक्यो, वावर आनी अधिकारांचो आसपाव केल्लो आसा. म्हण गांवांतल्या खंयच्याय विशिश्ट विकास प्रकल्पाक गांवाची सामुदायीक मान्यताय आसा अशें प्रमाणीत करपी ग्राम सभा ही सक्षम अधिकारिणी आसता. पूण त्या खातीर ग्राम सभेक फावो ते तरेन खासा आपयिल्ले बसकेंत जंय 50% कोरम आसा थंय ठराव घेवन मान्यताय दिवपाक जाय ही वन हक्क कायद्यांतली गरज जावन आसा.

वन हक्क कायद्या खाला हें सामकें तर्कसंगत मानचें पडटा तें म्हळ्यार सगल्या पात्र वन निवासी अनुसूचीत जमाती (FDSTs) आनी हेर पारंपारीक वन निवासीं (OTFDs) क ग्राम सभेचें प्रमाणपत्र लागू जाता. मागीर ताणी वन हक्कां खातीर दावे केले आसतले वा ते दावे प्रक्रियेंत आसतले वा दावे दाखलच जाल्ले नासतले.

## वन हक्क कायद्या प्रमाण वन हक्कांक मान्यताय मेळ्ळिलें प्रमाणीत करपी सक्षम अधिकारिणी कोण?

वयर सांगिल्ल्या कारणांक लागून एखाद्या विशिश्ट वन वाठारांत वन हक्क कायद्या प्रमाण हक्क मानून घेवपाची प्रक्रिया पुराय जाल्या अशें प्रमाणीत करपी अधिकारिणी संबंधित ग्राम सभा जावन आसा. हेर खंयचीय अधिकारिणी तशे दावे मागोवंक शकना वा मुदत वाडोवन दिवंक शकना - म्हण हेर खंयचीय अधिकारिणी तशें थारावंक शकना.

## जंय भारतीय वन कायदो - 1927 खाला आनी रानवटी जिवावळ (राखण) कायदो - 1972 खाला वसणूको पुराय जाल्यात थंय वन हक्क कायद्या खाला अधिकारांची पुनर्स्थापणूक गरजेची आसा?

वन हक्क कायद्याचे प्रस्तावनेचेर नदर मारल्यार कळटा कीं, हो कायदो वन निवासी समुदायांचे हक्क

मानून घेवपाक अपेशी जाल्ल्याचो इतिहासीक अन्याय पयसावप इतलोच ना. तर तो वन निवासी समुदायांक तांचो शाश्वात वापर, जैव विविधतायेची राखण हाच्या खातीर हक्क प्रदान करता आनी ते वरवीं पर्यावरणाचो समतोल राखता. ताका लागून जंगलाची संवर्धन वेवस्था घटमूट जाता. वन निवासी समुदाय हे वन परिसंस्थेचें अस्तित्व आनी तिगून रावपा खातीर वेगळावंक जायनात अशे घटक आसात. ह्या विचाराचेर वन हक्क कायदो आधारिल्लो आसा.

म्हण वन हक्क कायदो ठळक अश्या वन हक्कांक मानून घेवप आनी ते प्रदान करपाचेर आपणालें लक्ष केंद्रीत करता. ताका हक्कांची वेवस्था आनी लुकसाण भरपाय करून तंटे जाग्यार घालपाशीं कांयच लागणूक ना.

वन हक्क कायद्याक पाळो दिवप म्हळ्यार विकास प्रकल्पांचे अंमलबजावणींत आडखळ करप हें न्हय. खरें म्हळ्यार अश्या विकास प्रकल्पांच्या बाबतींत निर्णय घेवपा मदीं वन निवासी समुदाय पुरायेन वांटेकार जातले हाची खात्री करून घेवप. ताका लागून घटनात्मक आनी लोकशाही निर्णय घेवपाची अनिवार्यता पुराय जावंक पावता.

## किरकोळ

### राज्यांत सगल्या कडानी वन हक्क कायदो चालीक लावपा खातीर राज्य सरकार एक सारके कायदे आनी मार्गदर्शक तत्त्वां तयार करूंक शकता?

वन हक्क कायद्याच्या कलम 14 आनी 12 प्रमाण केंद्र सरकाराक वैधानिक नेम लागू करपाची आनी विशेश निर्देश दिवपाची अनुमती फावता.

तरी सुद्धां राज्य सरकाराक वन हक्क कायदो चालीक लावपा खातीर कसलोच प्रतिबंध ना. पूण त्यो सगल्यो सुचवण्यो वन हक्क कायदो आनी वन हक्क नेमावळ त्याच प्रमाण कलम 12 प्रमाण आसच्यो गरजेचें आसा. त्याच प्रमाण राज्याचे राज्यपाल नेम जारी करूंक शकतात. पूण ते भारतीय राज्य घटनेचे

पाचवे अनुसूचीन अनुसूचीत केल्ल्या वाठारां खातीर पांचव्या परिच्छेदा प्रमाण आसूंक जाय.

## कांय वसणुकांतल्या जमातींची मागणी आसा, ती तांचे जमातीच्या नांवान ती दिवची. वन हक्क कायद्या खाला तें जावंक शकता?

वन हक्क कायद्याचें कलम 3(1)(a) आदिवासींच्या समुदायाच्या नावार शेत करपाक मान्यताय दिता. पूण कायद्याच्या कमल 4(6) प्रमाण आदिवासींच्या समुदायाचे वहिवटींखाला आशिल्ली वन जमीन वेवसाया खाला आशिल्ल्या वाठारा पुरतेंच मर्यादित आसतली. (मुखार वाचात)

## वन हक्क कायद्या खाला वन हक्कांची मालकी कशी आनी कोणाच्या नावान दितात?

वन हक्क कायद्याच्या कलम 4(4) खाला हेर गजालीं वांगडाच कायद्या खाला दिल्लो वन हक्क वारसाकफावो आसतलो पूण तो परक्याक वा हस्तांतरणाक नासतलो आनी लग्न जाल्ल्यांच्या बाबतींत तो घोव-बायलेच्या नांवार जोडयेन नोंद जाल्लो आसतलो. जर कुटुंब प्रमुख एकलोच आसा जाल्यार ताच्या एकल्याच्या नांवार नोंद जातलो. जर थेट वारस ना जाल्यार वारसा क्क मागीरच्या लागींच्या कुटुंबियाक मेळटलो. आंतर जातीय लग्न केल्ल्या घोव-बायलेच्या दोगांच्याय नांवार जोड मालकी हक्क नोंद करपाक कायद्याचो कसलोच प्रतिबंध नासतलो. पूण त्या खातीर अर्जदार एक तर वन निवासी अनुसूचीत जमातीचो ना तर हेर पारंपारीक वन निवासी म्हण पात्र आसचो पडटलो.

दावेदाराच्या ताब्यांत आशिल्ली वास्तवीक लागवडीची जमीन जर दावो सांगिल्ले जमनी परस उणी आसता जाल्यार कलम 3(1)(a) खाला दावो न्हयकारूंक शकतात.

नेमावळीचो नेम 12(A)(8) प्रमाण स्वताचे लागवडी खातीरचे हक्क (जे कलम 3(1)(a) खाला मानून घेतल्यात, ते थरयिल्ले प्रमाण 4 हेक्टरांचे मर्यादेंत आसूंक जाय. ते मर्यादेंतले वापर करपाचे वन जमनींत गोरवां सांबाळप, पीक पिकावळीचीं-भात वाऱ्याक दिवप असलो, पिका उपरांतचो वावर दुसऱ्या पिकाची कस जावपा खातीरजमीन मेकळी दवरप (रोटेशनल फॅलो), रूख-रूखावळ, तांची फळ-

फळावळ उत्पदनांची साठवणूक असल्या हेर कामां खातीर वापरपाचे जमनीचोय आसपाव आसतलो.

## पूर्व-अस्तित्वांत आशिल्ले कायदेशीर मान्यतेच्या हक्कांचेर वन हक्क कायदो (FRA) कसो परिणाम करता?

वन हक्क कायद्याचें कलम 3(1)(i) मुखार दिल्ल्या वन हक्कांची तजवीज करता.

'वन हक्क म्हळ्यार खंयच्याय राज्याचो कायदो वा खंयचेय स्वायत्त जिल्हो परिशद वा स्वायत्त प्रादेशीक परिशद हांणीं मान्य केल्लो हक्क. खंयच्याय राज्याचे संबंधित जमातीच्या खंयच्याय पारंपारीक वा वंश परंपरागत कायद्या खाला आदिवासींचे हक्क म्हण मानून घेतिल्ले हक्क.'

त्या प्रमाण हो कायदो खंयच्याय राज्याच्या कायद्या खाला वा राज्यान मानून घेतिल्ले खंयचेय पारंपारीक वा चालंत आशिल्ले सगले पूर्व-अस्तित्वांतले अधिकार मानून घेता. तशी तरतूद ह्या कायद्यांत आसा. खूबश्या राज्यांनी वन जमनी वयल्या अधिकाराक मानून घेवपी अशे राज्याचे कायदे आसात. जशे- छोटा नागपूर भाडेकरू कायदो-1908 आनी संथाळ परगणा भाडे-करार कायदो-1949. झारखंड राज्यांत जंय राज्य घटनेच्या सवे अनुसूचीं खाला वाठार आसात तांकां स्वायत्त जिल्हो परिशदांनी विशेश कायदे केल्यात. ते कायदे सामुदायीक वन जमनीं वयले तांचे हक्क मानून घेतात. हे हक्क/अधिकार वन हक्क कायद्या व्याख्येंत आसपाविल्ले आसात.

## वन हक्क कायद्या खाला मानून घेतिल्ले खूबशे वन-हक्क फाटल्या कायद्या खाला बेकायदेशीर वावर म्हण मानल्यात. जशे संरक्षित वाठारांतलीं किरकोळ वन उत्पादनां पुंजावप. कांय प्रकरणां मदीं हे फौजदारी गुन्यांव म्हण मानून तांकां ख्यास्त आनी/वा बंदखणीची शिक्षा थारायिल्ली आसा. हो विरोधाभास कसो सोडवपाचो?

वन निवासी अनुसूचीत जमाती (FDSTs) आनी हेर पारंपारीक वन निवासी (OTFDs) हांकां वन हक्क

कायदो (FRA) मुळावे अधिकार दिता. कलम 3(1) हे हक्क परिभाशीत करून ते प्रदान करपाची तरतूद आसा. ही तरतूद म्हळ्यार ह्या कायद्याचो गाभो जावन आसा. ‘खंयच्याय कायद्यांत कसलीय तरतूद आसल्यार आनी ती अंमलांत/चालू आसल्यार सुद्धां ह्या कायद्याक ती लागू पडना’ ह्या सगले आडमेळे पयसावपी कलमान ह्या कायद्याची उबारणी केल्या.

हाचो अर्थ असो - वन हक्क कायद्या खाला मान्यताय मेळल्लि आनी प्रदान केल्ले वन हक्क हाच्या पयलींचे कायदे, नेम, मार्गदर्शक तत्वां, आनी न्यायालयान दिल्ल्या विरुद्ध निकालाच्या आड थारतात. हो कायदो पयलींच्या सगल्या कायद्यांक दपटयता.

देखीक भारतीय वन कायदो - 1927 खाला जर कोणीय राखीव वा संरक्षीत जंगलांतलीं किरकोळ वन उत्पादनां पुंजायतना सांपडलो जाल्यार ती मालमत्ता ही सरकारी मालकीची अशें कायदो मानता. जर किरकोळ वन उत्पादनां पुंजावप हो जर गुन्याव आसत जाल्यार ताका कडक ख्यास्त फावता. मागीर ती अटक, मालाची जप्ती, खटलो चलोवप अशी आसूंक फावता. आनी बंदखणीचीय ख्यास्त जावंक शक्य आसा. इतलेंच न्हय तर अशीं किरकोळ वन उत्पादनांची वाहतूक कोणय व्यक्ती करता जाल्या येरादारीच्या नेमा खाला ताका दोशी थारावन ख्यास्त जावंक शकता. पूण वन हक्क कायदो वन निवासी अनुसूचीत जमाती आनी हेर पारंपरीक वन निवासींक किरकोळ वन उत्पादनां पुंजावपाचो-वापराचो अधिकार/हक्क दिता. हें पुजावप, एकठांय करून ताची वाहतूक करपाचे वेवस्थापन करपाचो अधिकार ग्राम सभेक दिता. हें सगलें हेर कायद्यांत सांगिल्ल्या गुन्यावाच्या उलटें जावन आसा.

किरकोळ वन उत्पादनाचो हक्क वन निवासी अनुसूचीत जमाती आनी हेर पारंपारीक वन निवासींक वन हक्क कायद्याच्या कलम 4 (1) खाला प्रदान केल्लो मुळावो असो अधिकार आशिल्ल्यान राखीव जंगलांतल्यान किरकोळ वन उत्पादनां पुंजावप हो फौजदारी गुन्याव थारोवपी केंद्राच्यो वा राज्य कायद्याच्यो तरतुदींचे सर्वोपरी असो हो वन हक्क कायदो जावन आसा. पूण ते कायदे वन हक्क मान्य केल्ले नाशिल्ल्या अश्या व्यक्तींच्या विरुद्ध लागू आसतले. वन हक्क कायद्याचे हे तरतुदी वांगडाच ग्राम

सभेक असल्या व्यक्तीं आडफावो ती कारवाय करपाचो अधिकार हो कायदो दिता.

## वन हक्क कायद्याची अंमलबजावणी कांय वेळा न्यायालयाच्या विरुद्ध आशिल्ली दिसता. ताका लागून न्यायालयाचो अवमान जावपाची शक्यताय आसता. अश्या वेळार कितें करप?

संसदेन तयार केल्लो कायदो हो बऱ्याच वेळार मानादीक न्यायालयान दिल्ल्या निकालांच्या आड वा सर्वोपरी आसता हें एक मानून घेतिल्लें वैधानिक व्याख्येचें तत्व जावन आसा, म्हणच वन हक्क कायद्याच्या कलम 4(1) मदीं सगले आडमेळे पयस करपी कलमान तें सुरू केलां.

'खंयच्याय कायद्यांत कसलीय तरतूद आसली तरी आनी ती अंमलांत आसली तरीय ती ह्या कायद्याक लागू जायना आनी ह्या कायद्याच्या तरतुदी प्रमाण केंद्र सरकार वन हक्क मानून घेवन प्रदान करता.'

जर एखाद्या न्यायालयान आदेश दिल्ले आसतले आनी जे 'पर-इंक्युरिअम' (कायदो वा घडणूक हांच्या अज्ञानान वा फावो ती जाणविकाय नाशिल्ल्यान) वा वन हक्क कायद्यांतल्यो तरतुदी मतींत घेतल्यो नात, तेन्ना संबंधित कार्यकारी अधिकाऱ्यांनी कायद्याच्या योग्य प्रक्रियेक पाळो दिवन तें मानादीक न्यायालयाचे नदरेक हाडून दिंवक जाय.

## वन हक्क कायद्या खाला मेळिल्ले जमनीचे अधिकार हस्तांतरण करपाची तरतूद कित्याक केल्ली ना?

तरेकवार कारणांक लागून आदिवासींची जमीन रोखड्या-रोखडीच वगडावची पडल्या अशें मूल्यमापनांतल्यान दिसून आयलां. वन हक्क कायद्या खाला घटनात्मक आनी वैधानीक संरक्षण आसून सुद्धां जमीन वगडावप जावचें ना हाची खात्री करपा खातीर आनीफक्त पात्र दावेदारांनीच वन जमीन मालकीचो दावो केल्लो आसा हाची खात्री करपा खातीर ताची मालकी हस्तांतरण करपाची तरतूद दवरूंक ना.

## वन हक्ककायद्याच्या कलम 3(1)(a) मदीं 'उपजीविके खातीर स्वताची शेती (सेल्फ कल्टिव्हेशन फॉर लिवलीहूड)' खंयच्या वावराचो/कार्याचो आसपाव केला?

स्वताची शेती (सेल्फ कल्टिव्हेशन) ह्या उतराचें वर्णन वन हक्क नेमावळीच्या नेम 12A(8) खाला मुखार दिल्ल्या प्रमाण केलां.

'12 AXXX (8) कलम -3 उपकलम 1 क्लॉज (a) खाला स्वता-लागवडीचे जमनीचो हक्क थारायिल्ले मर्यादेंत आसतलो. तातूंत गोरवां सांबाळप, भात मळप, वाऱ्याक दिवप असल्या पीक-पिकावळींच्या वावरा खातीर, पिकां उपरांतचो वावर, दुसऱ्या पिका पयलीं कस निर्माण जावपा खातीर जमीन दवरप (रोटेशनल फॅलो), रूख-रूखावळ आनी तांच्या उत्पादनांच्या सांठवणे खातीरची जमीन हांचो आसपाव जातलो.'

म्हण अशे तरेन वन हक्क कायदो आनी वन हक्क नेमावळ वस्तुस्थिती मतींत घेवन शेती म्हळ्यार फक्त लागवड न्हय तर ताच्या संबंदित आनी अनुशंगीक/अतिरिक्त वावराची वळेरी लक्षांत घेतल्या. नेम 2-(1)(b) खाला 'खरेपणाची उपजीविकेच्यो (बोना फायड लिव्हलीहूड) गरजो' म्हळ्यार स्वताच्या आनी कुटुंबाचे उपजीविकेच्यो गरजो. तातूंत ह्या अधिकारा खाला केल्ल्या घोळटिकेतल्यान मेळिल्ल्या चडावत उत्पन्नाची विक्री आनी विलो हांचो आसपाव केला.

## जे व्यक्ती कडेन वन हक्क प्रदान केल्ले आसात वा जे व्यक्तीक ते वारसा हक्कान मेळ्ळ्यात ते वन जमनीचो वापर बदलपाची परवानगी आसा?

वन हक्क कायद्याच्या कलम 3(1)(a) खाला हक्कदाराक स्वताचे वसती खातीर आनी स्वता करपाचे लागवडीचे अधिकार हांचो आसपाव केल्लो आसा. वन हक्क नेमावळींत नेम 12 A (8) खाला सांगिल्ल्या प्रमाण स्वताचे लागवडी बराबरच हेर कितल्याश्या अनुशंगीक वावरा खातीर - जशे गोरवां

सांबाळप, भात मळप, वाऱ्याक दिवप असल्या पीक-पीकावळींच्या वावरा खातीर, पिकां उपरांतचो वावर, दुसऱ्या पिका पयलीं जमनींत कस तयार जावपा खातीर सोडिल्ली जमीन, रूख-रूखावळीच्या उत्पादनांची सांठवण हांच्या खातीर जमनीचो वापर करपाचो अधिकार आसपावता. हांतल्या खंयच्याय वापरा खातीर व्यक्तीच्यान जमनीचो वापर करूं येत.

## वन हक्क कायद्या खाला हक्क मानून घेवपाची प्रक्रिया पूर्ण जाल्ली म्हण ताका जमनीचेर अतिक्रमण केलां ह्या कारणा खाला भायर काडूं येता?

वन हक्क कायद्या खाला प्रक्रिया चालू आसतना खंयच्याय वन निवासी भोगवटदाराक राज्य सरकाराच्यान भायर काडूंक जायना. जर जिल्हो पावंड्या वयले समितीन दावो अमान्य केलो, आनी दावेदारान कायद्यान दिल्ल्या हेर अधिकारांचो/उपायांचो वापर केलो ना अशें घडये मानून घेतल्यार त्या दावेदाराक भारतीय वन कायदो-1927 खाला सांगिल्ले योग्य प्रक्रियेक पाळो दिवन भायर काडूं येता. वन हक्क कायद्यांत अतिक्रम पयसावपाची तरतूद वा प्रक्रिया मागीर ना. मागीर दावो आपसूकच वा न्हयकारल्यार आसूं पूण हो वन हक्क कायद्याचो विशय न्हय.

## वन हक्क मान्य करून प्रदान करपाची प्रक्रिया आनी सामुदायीक वन संसाधनांचो हक्क दितगीर जर कांय वर्सांनी जंगलांचेर अवकळा आयल्या अशें नदरेक आयल्यार ताचेर कितेंय उपाय आसा?

वन हक्क कायद्याचें कलम 5 ग्राम सभेक मालकी आनी अधिकार दितनाच वन निवासींचे ग्राम सभेचेर पर्यावरणीय संसाधनांची राखण आनी शाश्वत उदरगतीचीं तत्वां सामुदायीक वन संसाधनांचे वेवस्थापन करपा मदीं आपणावपाची जापसालदारकी सोंपयता. जर सामुदायीक वन संसाधनाच्या बाबतींत ग्राम सभा जंगलां, जैव विविधताय, रानवटी जिवावळ आनी हेर सैमीक संसाधनांक लुकसाणी जावपाचे पद्धतींत घुस्पल्ली सांपडल्या जाल्यार पर्यावरण राखणेचे खूबशे फायदे आसात, तांची कारवाय तसली परिस्थिती सुदारपा खातीर करूं येता.

# संक्षेपीकरण आनी आद्याक्षरीकरण

BPL - Below Poverty Line (दळद्रि रेशे सकयले)

CFR - Community Forest Resource (सामुदायीक वन संसाधनां)

DLC - District Level Committee (जिल्हो पावंड्या वयली समिती)

FDST - Forest Dwelling Scheduled Tribe (वन निवासी अनुसूचीत जमात)

FRA - Scheduled Tribes and Other Traditional Forest Dwellers (Recognition of Forest Rights) Act, 2006 (अनुसूचीत जमाती आनी हेर पारंपारीक वन निवासी (वन हक्क मान्यताय कायदो 2006)

FR Rules - Scheduled Tribes and Other Traditional Forest Dwellers (Recognition of Forest Rights) Rules, 2008 (as amended in 2012 ) (अनुसूचीत जमाती आनी हेर पारंपारीक वन निवासी (वन हक्क मान्यताय नेमावळ 2008 (2012 वर्सा सुधारिल्ले प्रमाण)

FRC - Forest Rights Committee (वन हक्क समिती)

Himachal Pradesh Panchayati Raj Act,1994 (हिमाचल प्रदेश पंचायती राज कायदो-1994)

IAY - Indira Awas Yojana (इंदिरा आवास येवजण)

JFM - Joint Forest Management (जोड वन वेवस्थापन)

MFP - Minor Forest Produce (किरकोळ वन उत्पादनां)

MGNREGA - Mahatma Gandhi National Rural Employment Gurantee Act (महात्मा गांधी राष्ट्रीय ग्रामीण रोजगार हमी कायदो)

MoEF&CC - Ministry of Environment, Forests & Climate Change (पर्यावरण, वन आनी हवामान बदल मंत्रालय)

OTFD - Other Traditional Forest Dweller (हेर पारंपारीक वन निवासी)

PESA - Panchayati Raj Extension to Scheduled Areas (अनुसूचीत वाठारा खातीर पंचायती राज विस्तारणी)

PVTG - Particularly Vulnerable Tribal Groups (खासा आघातक्षम जमातींचे पंगड)

SCA - Special Central Assistance (खाला केंद्रीय सहाय)

SDLC - Sub - Divisional Level Committee (जिल्हो पावंड्या वयली उपसमिती)

ST - Scheduled Tribe (अनुसूचीत जमात)

TSP - Tribal Sub Plans (जमातीचो उप आराखडे/येवजण्यो)

✻✻✻

# तळटिपो/संदर्भ (Footnotes)

1) HP पंचायती राज अधिनियम, 1994 कलम 5(3) खाला ग्राम सभेचे बसकेक जाय तो कोरम-वट्ट घराब्यांतल्या एक वा त्या परस चड वांगड्यांची एक तृतियांश संख्या.

2) टी.एनब. गोदावर्मन तिरुमालपाद विरुद्ध भारत सरकार आनी हेर (1997) 2 एससीसी 267 @ चौथो परिच्छेद.

4) 2010 वर्साच्या जन हित याचिका क्र.. 100चेर 3.5.2013 दिसा गुजरात हायकोर्टान दिल्लो निकाल सामाजीक आरोग्यआनी कार्य संशोधन विरुद्ध गुजरात सरकार आनी हेर.

5) सुप्रा

6) सुप्रा नोट 1

7) I.A.No.2 मदलो आदेश (ता.13/11/2000) सर्वोच्च न्यायालयांत चलिल्या सेंटर फ्फ़ॉर एनव्हायरोमेंट लॉ, डब्ल्यू डब्ल्यू एफ विरुद्ध भारत सरकार ह्या खटल्याचो संदर्भ-जन हित याचिका (c) नं 325.

8) ऍक्शन रिसर्च इन कॉम्युनिटी हेल्थ अँड डेव्हलपमेंट (ARCH) विरुद्ध गुजरात, सरकार आनी हेर, रीट पिटीशन (जन हित याचिका) क्र. 100/2011, गुजरात हायकोर्ट हांचो 3/5/2013 चो निकाल.

9) भारत सरकाराच्या पर्यावरण आनी वन मंत्रालयाचें 1/6/1990 तारखेचें पत्र क्र. 6.21/89 जैव विविधता कायदो 2002 खाला आशिल्ल्या समित्यां बदल किर्ते ?

10) ओडिशा मायनिंग कॉर्पोरेशन विरुद्ध पर्यावरण आनी वन मंत्रालय आनी हेर, 2013(6) एस.सी.सी 476

13) ओडिशा मायनिंग कॉर्पोरेशन विरुद्ध पर्यावरण आनी वन मंत्रालय आनी हेर (2013) 6 एससीसी 476

❊❊❊

सत्यमेव जयते
Government of India
Ministry of Tribal Affairs

UNDP
*Empowered lives.*
*Resilient nations.*

सत्यमेव जयते

**GIPARD**
**GOA INSTITUTE OF PUBLIC ADMINISTRATION & RURAL DEVELOPMENT**

Ella Farm, Old Goa 403 402 0832-2953985/86/87 gird.goa@nic.in gipard.gov.in